# कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकाराचें भारतीय चित्रपटांत योगदान

**(Konkani Samăj, Sangeet Ani Kalăkărănche Bhărtiya Chitrapatănt Yogdăn)**

A Dissertation for

Paper code: KON – 650

Credits: 16

Submitted in Partial fulfilment of Master’s Degree in Konkani

by


**PALASH DATTAPRASAD SINAI AGNI**

22P0180030

987-354-738-478

201608547

Under the Supervision of

**DR. HANUMANT CHANDRAKANT CHOPDEKAR**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

GOA UNIVERSITY


APRIL 2024

# कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकाराचें भारतीय चित्रपटांत योगदान

**(Konkani Samăj, Sangeet Ani Kalăkărănche Bhărtiya Chitrapatănt Yogdăn)**

A Dissertation for

Paper code: KON – 650

Credits: 16

Submitted in Partial fulfilment of Master's Degree in Konkani

by


**PALASH DATTAPRASAD SINAI AGNI**

22P0180030

987-354-738-478

201608547


Under the Supervision of


**DR. HANUMANT CHANDRAKANT CHOPDEKAR**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

GOA UNIVERSITY


APRIL 2024

Examined by: Seal of the School

3

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this dissertation report entitled, **“कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकाराचें भारतीय चित्रपटांत योगदान”** is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Dr. Hanumant C. Chopdekar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Palash Dattaprasad Sinai Agni

22P0180030

16/04/2024

Goa University

5

## COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report **“कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकाराचें भारतीय चित्रपटांत योगदान”** is a bonafide work carried out by Mr. Palash Dattaprasad Sinai Agni under my supervision in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of Masters in Arts in the Konkani Discipline at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa Univeristy.

Dr. Hanumat C. Chopdekar

16/04/2024

GOA UNIVERSITY
SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE
TALEIGAON PLATEAU

Signature of Dean of the School

School/ Dept Stamp

16/04/2024

Goa University

# उपकाराचीं उतरां

"कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकाराचें भारतीय चित्रपटांत योगदान" ह्या माथाळ्या खाला म्हाका ही प्रबंधिका करपाक मान्यताय आनी संदी दिल्ले खातीर गोंय विद्यापीठाचे हांव सगळ्यांत पयलीं उपकारी आसा.

पदवीत्तर शिक्षण घेता आसतना विशय घेवन प्रबंधिका करपाक पर्याय दिल्लो तेन्नाच हावेंन हो विशय घेवन फुडें वतलो हें थारायलें. उपरांत प्रबंधिका करपाक सक्तीचें जालें. हो विशय घेता आसतना ह्या विशयाच्या संदर्भांत चड म्हायती उपलब्द आसची ना हाची म्हाका पुराय खात्री आशिल्ली पूण ताच्या परस जाता तितली सोदून काडपाची स्पुर्त म्हज्यात आशिल्ली. एक दीस अशेंच चर्चेक बशिल्ले कडेन भो. संदेश प्रभुदेसाय हांणी हो विशय मांडलो आनी हावेंन तो उखलून धरलो. ही पुराय प्रबंधिका जायमेरेन तांणी म्हाका आदार दिल्ले खातीर हांव तांचो उपकारी आसा.

प्रबंधिका करता आसतना वेळाची मर्यादा आशिल्ले कारणान हावेंन हो विशय ल्हान पातळेचेर करपाचो विचार केलो आनी बॉलीवूड चित्रपटसृश्टी ह्या विशया पुरतो दवरलो. ह्या विशयाचो खोलायेन अभ्यास करतलो जाल्यार मुंबय वचप म्हाका गरजेचें आशिल्लें आनी ताका लागून थंय साबार लोकांक हावेंन संपर्क सादलो. सगळ्यांत पयलीं भो. राकेश बक्शी जांणी म्हाका ह्या विशयाचेर

थंय अभ्यास करपी लोकांकडेन संपर्क जोडून दिलो म्हण तांचे हांव उपकारी आसा. भो. मानीक प्रेमचंद हांणी दिल्ल्या म्हायती आनी आदाराक लागून तांचो लेगीत हांव उपकारी आसा. भो. राजीव विजयकारा जांणी स्वता म्हायती दिली तशेंच बॉलीवूड इंडस्ट्रींतल्या संगीतकारां कडेन वळख करून दिल्ले खातीर तांकां हांव दिनवासता. भो. अमर हलदीपुरा, भो. प्यारेलाल शर्मा, भो. एहसान नुरानी, भो. शंकर अय्यर हांचे हांव उपकारी आसा.

भारतांत येवन बॉलीवूड संगीताचेर अभ्यास करपी ऑक्सफोर्ड विद्‌यापीठाचे अभ्यासक भो. ग्रिगोरी डी. बुत हांचो हांव खासा मदत केल्ले खातीर चडांत चड उपकारी आसा.

भो. बाड्रेय बरेटो हांणी दिल्ल्या म्हायती खातीर तशेंच तांणी दिल्ल्या आदाराखातीर तांचो उपकारी. गोंयांत ह्या विशयाचेर म्हायती दिवपाक आदार करपी भो. साईश पाणंदीकार, भो. धर्मानंद वेर्णेकार हांकां हांव दिनवासता.

अभ्यास कर्म पुराय करपाक पावला - पावलाक लागपी सगळी मदत केल्ले खातीर हांव म्हज्या घरच्याचें लेगीत उपकारी आसा. ह्या विशयाचो अभ्यास करपाक म्हाका आदार दिल्ले खातीर दर एका व्यक्तीक हांव मनाकाळजासावन दिनवासता.

निमाणें सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हाका हो विशय घेवन अभ्यास करता आसतना मार्गदर्शन केल्ले खातीर डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांचो हांव सदांच उपकारी आसतलो.

पलाश दत्तप्रसाद सिनाय अग्नी

गोंय विद्यापीठ

16/04/2024

# प्रबंधिकेचो सारांश

"कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकाराचें भारतीय चित्रपटांत योगदान" हो विशय घेवन हे प्रबंधिकेचो अभ्यास केला. कोंकणी मातयेंतल्या कलाकारांनी आनी खेरीतपणान गोंयकारांनी भारतीय चित्रपटाक उपाट योगदान दिल्लें आसा पूण तें केन्नाच लोकांमुखार आयलें ना आनी तांकां जितलो मान आनी तांचे कार्याक फावो ती सुवात मेळूंक ना. म्हूण हे प्रबंधिकेंत तांच्या वावराचो अभ्यास केल्लो आसा.

हे प्रबंधिकेंत वेगवेगळे विशयांतल्यान रितसर मुद्दे मांडल्यात ते अशे आसात;

1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश
2. भारतीय चित्रपटाची वाटचाल
3. कोंकणी समाज आनी भारतीय चित्रपट
4. भारतीय चित्रपटांतलें कोंकणी संगीत
5. भारतीय चित्रपटांतल्या वेंचीक कोंकणी कलाकारांचें योगदान

ह्या प्रकरणांच्या माध्यमांतल्यान केल्लो अभ्यास हांगा मांडिल्लो आसा. तशेंच अभ्यास करता आसतना उप्रासिल्ल्या साबार प्रस्नाच्यो जापो लेगीत सोदिल्ल्यो आसात.

कोंकणी कलाकारांनी दिल्ल्या योगदानाक फावो तो मान मेळ्ळूंक ना आनी तांचेर अन्याय जाल्लो हे अभ्यासांतल्यान मुखार आयला. गोंय आनी गोंयकारपण, बॉलिवूडांत येता आसतना चुकिचे तरेन आयिल्लें पळोवपाक मेळटा आनी ताका लागून सगळे भारतीय गोंयचे विशीं चित्रण करताना तें चुकिचें करतात.

एकंतर, हे प्रबंधिकेच्या माध्यमांतल्यान तो अन्याय जाता तितलो पयस करपाचो प्रयत्न केल्लो आसा.

# मांडावळ

1. **प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश** **(15-22)**

1.1 प्रस्तावना

1.2 विशयाची निवड आनी व्याप्ती

1.3 अभ्यास पद्दत

1.4 विशय प्रवेश

2. **भारतीय चित्रपटाची वाटचाल** **(23-36)**

2.1 भारतीय चित्रपटाचो उगम आनी उदरगत

2.2 म्हत्वाच्यो भारतीय चित्रपट इंडस्ट्री

2.3 आयज भारतीय चित्रपटाची स्थिती

3. **कोंकणी समाज आनी भारतीय चित्रपट** **(37-44)**

3.1 कोंकणी समाज

3.2 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लो कोंकणी समाज

3.3 चित्रीत केल्ल्या समाजाचें आनी खऱ्या कोंकणी समाजाचो तुलनात्मक अभ्यास

4. **भारतीय चित्रपटांतलें कोंकणी संगीत** **(45-56)**

4.1 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी संगीत आनी संगीतकार

4.2 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी लोकसंगीत

4.3 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लीं कोंकणी वाद्यां

**6. भारतीय चित्रपटांतल्या वेंचीक कोंकणी कलाकारांचे योगदान** **(57-75)**

5.1 एन्थनी गोन्साल्वीस

5.2 क्रिस पेरी

5.3 चीक चॉकलेट

5.4 आशालता वाबगांवकार

5.5 लॉर्ना काल्देरा

5.6 आल्फ्रेड रोझ

5.7 रेमो फेर्नांडीस

6. **निश्कर्श आनी समारोप** **(77-87)**

7. **आदारावळ** **(89-90)**

8. **परिशिश्ट** **(91-101)**

8.1 परिशिश्ट 1

भारतीय चित्रपटांत योगदान दिल्ल्या गोंयकार कलाकारांची वळेरी

8.2 परिशिश्ट 2

भारतीय चित्रपटांत कोंकणी संगीत एक फोटोझलक

8.3 परिशिश्ट 3

गोयांत चित्रीत केल्ल्या कांय चित्रपटांचे पोस्टर आनी चित्रीत जाल्ले खीण

# प्रकरण 1

## 1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश

1.1 प्रस्तावना

1.2 विशयाची निवड आनी व्याप्ती

1.3 अभ्यास पद्दत

1.4 विशय प्रवेश

# 1. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेश

आमी आयज मेरेन चित्रपट पळयत आयल्यात. तो कसो करतात वा ताची फाटल्यान कितल्या लोकांचो हात आसता हें आमकां सहजा खबर आसना. भारतीय चित्रपट वेगवेगळ्या चित्रपटसृश्टींनी वाटून गेला. तातूंतल्यो काय म्हत्वांच्या चित्रपटसृश्टींचेर ह्या प्रबंधिकेंत भाश्य लेगीत केल्ले आसा.

भारतीय चित्रपटाक कांय वर्सां आदीं 114 वर्सां पुराय जाली. पूण कितलेशेच कलाकारांचो भोवमान वा तांकां फावो तो मान केन्नाच मेळ्ळो ना आनी दुख्खाची गजाल म्हणल्यार ह्या कलाकारां मदीं आमचे गोंयकार कलाकारांचो लेगीत आसपाव आसा. म्हज्या ह्या प्रबंधिकेंतल्यान हावेंन कित्याक तांकां पयस दवरप जाला आनी तांणी भारतीय चित्रपटसृश्टीक कितें दिलां हें सोदून काडलां.

ह्या प्रकरणांत आमी म्हजो हो विशय निवडापा फाटलो हेतू आनी ताची व्याप्ती, ह्या विशया खातीर हावेन केल्ली तयारी, ह्या विशयाचो आंवाट खूब मोठो आशिल्ले कारणान हावेन स्वताक एख मर्यादा घालून घेतल्या एका सिमेपुरतो म्हाका आडावन दवरिल्याचें हावेन ह्या प्रकरणांत सांगलां.

## 1.1 प्रस्तावना

कोंकणी भूंय ही सदांच संवसारांत एक नामनां मेळोवन दिवपी थारल्या ती मागीर तंत्रगिज्ञानाच्या मळार आसूं वा हेर कसल्याय विशयांत. कोंकणी मातयेंत जल्माक आयिल्या भुरग्यान सदांच आपली खेरीत वळख राखल्या. कोंकणी मनीस आपलें व्हडपण केन्नाच गायना आनी कोणें गायलें ना जाल्यारय केन्नाच ताचें वायट चितना. सादरण अशीच कोंकणी मनशाची अवस्था भारतीय चित्रपट सृश्टींत जाल्या. केल्ल्या कामाची केन्नाच तोखणाय मेळूंक नाशिल्ल्या कारणान साबार लोक पड्या फाटल्यानच उरल्यात. कोंकणी मनीस जेन्ना खंय वता तेन्ना आपले वांगडा आपली कला, संस्कृती, भास आनी आपल्या भुंयेंतल्या मातयेचो वास घेवन वता. जेन्ना कोंकणी मनीस असोच भारतीय चित्रपटसृश्टींत गेलो तेन्ना लेगीत आपले वांगडा कला, संस्कृती आनी भास घेवन गेलो.

ह्या प्रबंधिकेंत हांवेन ह्याच कार्याचें संशोधन केल्लें आसा. आमच्या कोंकणी कलाकारांनी केल्लो वावर जरी थंय पड्या फाटल्यान उरलो जाल्यार लेगीत आमी तो मुखार हाडपाची गरज आसा आनी हाकाच लागून **“कोंकणी समाज, संगीत आनी**

**कलाकारांचें भारतीय चित्रपटांत योगदान”** ह्या विशया खाला ताचेर संशोधन करून विस्तारान तो मांडपाचो यत्न हांगा केला.

ह्या संशोधनातल्यान कोंकणी संगीताच्या मळार वावूरपी महान गोंयकारांची खबर नाशिल्ली म्हायती लोकांक मेळोवपाक उपयोगी पडटली हाची म्हाका आस्त आसा. ह्या संशोधनांच्या विशयाक जरी मर्यादा आसली तरी लेगीत म्हायती एकठांय करतना हांवेन मर्यादा पाळिल्ली ना कारण आयज ह्या आमच्या लोकांचें, आमच्या भाशेचें आनी आमच्या भुंयेची ही व्हडविकाय लिपून उरपाक जायना.

## 1.2 विशयाची निवड आनी व्याप्ती

भारताच्या आनी गोंयच्या इतिहासांत खूब वेगवेगळ्यो गजाली घडल्यात. भारतांत ब्रिटीश हुकूमशाय आशिल्ली जाल्यार गोंयांत पुर्तूगेज वसणूक. 1947 वर्सा जेन्ना भारत देश स्वतंत्र जालो तेन्ना गोंय पुर्तूगेजांच्या शेकातळा आशिल्लें. 14 वर्सां उपरांत 1961 वर्सा गोंय स्वतंत्र जालें. गोंय वेगळे राजवटींत आशिल्ले कारणान हांगचे कायदे आनी वेवस्था वेगळी आशिल्ली आनी ताकाच लागून गोंयां भायर वतलो जाल्यार पासपोर्ट आसप गरजेचो आशिल्लो. अश्या काळांत साबार गोंयकार कामाक लागून गोंयां

भायर गेले. ह्याच मनश्यांमदीं गोंयचे नामवंत कलाकार आशिल्ले जांणी आपली कला हिंदी चित्रपटसृश्टींत दाखयली.

ते मुंबय वता आसतना आपली कला, संस्कृती, समाज आनी भास वांगडा घेवन गेले. हिंदी चित्रपटसृश्टी वांगडाच हेर चित्रपटसृश्टींत आमकां कोंकणी मनशांचो आसपाव दिसता पूण ह्या प्रबंधिकेचो विशय आनी आंवाठ जरी व्हडलो आसलो तरी लेगीत प्रबंधिकेक मर्यादिचें बंदन आशिल्ले कारणान प्रस्तूत वावर हिंदी चित्रपटसृश्टी पुरतो मर्यादीत दवरला.

हांगां प्रबंधिकेच्या विशयांत **“कोंकणी”** हें उतर वापरलां. कोंकणी समाज महाराष्ट्रांतल्या वसई साकून सुरू जाता आनी केरळांत कोची मेरेन सोपता. हो प्रदेश इतिहासीक कारणांक लागून वेगळो जरी आसलो तरी लेगीत भास आनी संस्कृतीक नदरेंतल्यान तो एक कोंकण प्रदेश आसा आनी ताका लागून हो पुराय कोंकणी वाठार घेनासतना ह्या कोंकणी वाठारांत येवपी गोंय ह्या एकूच राज्याकडेन म्हाका मर्यादीत दवरला.

ह्यो दोन मर्यादा पाळिल्ल्या कारणान हांगां वेळाच्या बंदनांतल्यान विशयाक चड न्याय दिवपाक मेळ्ळा आनी केल्ले संशोधन चड प्रभावीपणान मांडपाक मेळ्ळां. प्रस्तूत घेतिल्ल्या विशयाची व्याप्ती समजून घेवन हो निर्णय म्हाका अभ्यासक म्हूण

घेवंचो पडलो पूण फुडाराक ह्या विशयाची, मर्यादा पाळनासतना सखोल अभ्यास करपाचो म्हजो हावेस आसतलो.

### 1.3 अभ्यास पद्दत

ह्या विशयाक धरून पुर्वअभ्यास करतना कांय चित्रपट नदरेंत आयले जातूंत कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकारांचो आसपाव आसा. पूण ह्या संदर्भांत पुराय रितीन एकाच कडेन म्हायती मेळना वा संवंदी विशयाक धरून मेळना, मेळटा ती म्हायती व्यक्तीगत रुपांत मेळटा देखीक दिग्दर्शक भो. बाड्रे बरेटो हांचो “नाचुया खुंपासार” हो चित्रपट. तशेंच कोंकणी समाजाचो भारतीय चित्रपटांत योगदान म्हणटात तेन्ना कोंकणी चित्रपटसृश्टीचो उल्लेख जावप म्हत्वाचो आसता आनी ताका लागून भो. इजिदोर दान्तस हांचें “कोंकणी चलचित्रां” हें पुस्तक आमकां वाचपाक मेळटा.

विशयाचो पुर्वअभ्यास करतना ह्या दोन साहित्यप्रकारांचो उल्लेख म्हाका मुखेलपणान दिसून आयलो आनी उरिल्लो सगळो व्यक्तीगत पातळेचेर मुलाखतींतल्यान आनी भासाभास करून म्हायती एकठांय करपाचो यत्न केलो.

हे प्रबंधिकेचें संशोधन करतना वर्णनात्मक, समाजशास्त्रीय, इतिहासीक आनी तुलनात्मक संशोधनाचो वापर केल्लो आसा. तशेंच साहित्य वाचून, चित्रपट पळोवन आनी

मुलाखतींतल्यान म्हायती एकठांय केल्या. ह्या विशयाचो सखोल अभ्यास करपाक कांय दीस मुंबय वचून रावलो. थंय रावून कांय जाणकार लोकांकडेन भासाभास करून सविस्तर म्हायती एकठांय केली तशेंच कांय म्हत्वाच्या जाग्यांचेर भेट दिवन ती म्हायती संकलीत केल्ली आसा.

### 1.4 विशय प्रवेश

'बॉलीवूड' ही भारतांतली एक मुखेल चित्रपटसृश्टी. आयज सगळ्यांच बॉलीवूड चित्रपटसृश्टींत जें कितें आसा तें मागीर संगिताच्या मळार आसूं वा साहित्यीक वावरांतल्यान आयिल्लें आसूं तें तांचेच मुळावें आसा असो समज हेर लोकांक जाता. दुर्देवान हो गैरसमज पयस करपाचो प्रयत्न कोणाचोच जायना. देखीक, हिंदी चित्रपटांत येवपी कोंकणी समाज हो पुराय दीस सोऱ्यांत आनी दर्यादेगेरच आसता अशें दाखयतात पूण हें कित्तपर खरें आसा? हो सगळो गैरसमज आमी पयस करतले जाल्यार अशी संशोधनां जावपाची गरज आसा.

प्रस्तूत संशोधनांतल्यान कोंकणी कलाकार, समाज आनी संगीत हांचो वावर आनी योगदान हाचेर चड भाश्य केल्लें आसा कारण ह्या संशोधनाची लेगीत तितलीच गरज आसा. फामाद गायक सर्गेस्त किशोर कुमार हांचें **“मुन्ना बडा प्यारा”** हें गीत जरी हिंदी आसलें जाल्यार ताचें संगीत 200 - 300 वर्सां पयलींचें आसा आनी तें कोंकणी मातयेचें आसा. कोंकणी लोकगीत **“हुंदरा म्हज्या मामा”** ह्या गीताच्या संगीताचो तश्याच्या तसो वापर ह्या हिंदी गिताक घेतला पूण केन्नाच कोणेच ताचो उल्लेख केलो ना. ह्या कारणाक लागून हें संशोधन जावप लेगीत तितलेंच म्हत्वाचें आशिल्लें आनी हांव योग्य तो अभ्यास करपाक पावलां आसतलो हाची आशा आसा.

## संदर्भ वळेरी


1. https://en.wikipedia.org/wiki/Cinema_of_India.
2. https://en.wikipedia.org/wiki/Konkani_cinema.
3. https://youtu.be/vzYEU0KGj9g.
4. https://en.wikipedia.org/wiki/Goans_in_Hindi_film_music_composition.

# प्रकरण 2

## 2. **भारतीय चित्रपटाची वाटचाल**

2.1 भारतीय चित्रपटाचो उगम आनी उदरगत

2.2 म्हत्वाच्यो भारतीय चित्रपट इंडस्ट्री

2.3 आयज भारतीय चित्रपटाची स्थिती

# 2. भारतीय चित्रपटाची वाटचाल

## 2.1 भारतीय चित्रपटाचो उगम आनी उदरगत

एकाच वर्सा 15 कोटी परस चड जोड करपी, लागीं लागीं 80 हजार लोकांचें पोट भरपी, एकाच वेळार 9 हजार अदीक पड्यांचेर लोकांक दिसपी. संवसारांत पयल्या क्रमांकाचेर आपलें नांव सांबाळपी अशी आमची **भारतीय चित्रपटसृश्टी**. ह्या भारतीय चित्रपटाची वाटचाल सामकी आगळी वेगळी आनी खेरीतपणान जाल्ली दिसून येता.

1913 ह्या वर्सा नामनेचे चित्रपटकार दादा साहेब फाळके म्हणजेच धुंडीराज गोविंद फाळके हांणी **राजा हरिशचंद्र** ह्या नांवाचो चित्रपट तयार केलो आनी तो गिरगांवच्या कॉरनेशन ह्या चित्रपट घरांत दाखयल्लो.[1]

दादासाहेब फाळके हांणी 1913 वर्सा सिनेमा भारतांत हाडलो म्हण जरी आमी म्हणलें जाल्यार तें खऱ्या इतिहासा कडच्यान खूब पयस आसा अशें ब्रिटीश वाचनालयांत क्युरेटर ऑफ मुवींग इमेजीस म्हण काम सांबाळपी ल्युक मेकर्नन (Luke McKernan) म्हणटात, “हो इतिहास कोण चड समजून घेवपाक सोदना आनी ताका लागून काळखांत उरला.”[2]

7 जुलय 1896 ह्या दिसा लुमियार ब्रदर्स (Lumiere Brothers) जांकां विश्व सिनेमाचे शिल्पकार म्हणटात तांणी मारियस सेसतियार (Marius Sestier) हाका तांचे कांय लघुपट घेवन भारतांत धाडलो. तो मुंबय आयलो आनी वॉटसन्स ह्या हॉटेलांत ब्रिटीशांक ते लघुपट दाखयले.[3]

वॉटसन्स हॉटेलांत त्या दिसा भारतीय चित्रपटाचो उगम जालो म्हणल्यार अतिताय जावची ना. तसो वॉटसन्स हॉटेलाक एक वेगळो इतिहास आसा तो म्हणल्यार, म्हणटात नामनेचे उद्योगपती जमशेदजी टाटा एक फावट त्या हॉटेलांत गेल्ले पूण तें हॉटेल युरोपांतल्या लोकांक राखीव आशिल्ल्या कारणान तांकां थंय भितर वचपाक दिलें ना आनी त्या हट्टान तांणी भारतीय लोकांक खातीर म्हण **द ताज** हें हॉटेल बांदलें आनी त्याच ताज हॉटेलान वॉटसन्स हॉटेलाचे अस्तित्व ना केलें. आयज त्या इमारतींत कांय वकीलांचीं दफ्तरां आसात आनी लोकांचीं घरां. एका काळार भव्य दिव्य अशें हें हॉटेल जाणें भारतीय सिनेमाचो उमग पळयल्लो, आयज एक खंडर जालां.[4]

ह्या सगळ्यां मजगतीं हरीलाल सेन नांवाचो एक फिल्ममेकर कोलकोत्तांत वावर करतालो. ताणें हे सगळे लघुपट दोन वर्सां उपरांत कोलकोत्तांत पळयले पूण त्या दीस हरिशचंद्र

सखाराम भटवाडीकार नांवाचो फोटोग्राफर जाका सगळे सवे दादा म्हण वळखताले तो थंय आशिल्लो. ताणें त्या दीस प्रेरणा घेवन आपणाक लेगीत तसलोच एक कॅमेरा मागयलो.

भटवाडीकार हांचो पयलो चित्रपट आनी भारतीय सिनेमाचो खरो पयलो चित्रपट 1899 वर्सा तयार जालो. हेंगींग गार्डनान जाल्या खुश्तीचें तांणी चित्रीकरण केल्लें आनी तें परत यु. के. च्या लैबांत प्रोसेस करपाक धाडून दिलें. तें येता म्हणसर भटवाडीकार हांणी प्रोजेक्टर घेवन विदेशी चित्रपट दाखोवपाक सुरवात केल्ली. तांचो चित्रपट तयार जावन आयलो तेन्ना तांणी स्वता तो दाखयनासतना विदेशीच चित्रपट दाखोवप चालू दवरलें.

भटवाडीकार हांचें भारतीय चित्रपटसृश्टीक आनीक एक महत्वाचें योगदान म्हणल्यार भारतांतले पयले बातमीचें चित्रीकरण लेगीत तांणीच केल्लें. जेन्ना गणिताचे विव्दान आर. के. परांजपे भारतांत परत आयिल्ले.[5]

## 2.2 म्हत्वाच्यो भारतीय चित्रपट इंडस्ट्री

03 मे 1913 ह्या वर्सा भारतांत चित्रपटकलेंन पयलें पावल घालें. दादासहेब फाळके हांणी ‘राजा हरिशचंद्र’ ह्या चित्रपटा वरवी भारतांत चित्रपटाची सुरवात केली असो भव्य इतिहास आमकां सगळ्यांकच खबर आसा.

भारतांत आयज कितलेशेच लोक चित्रपटांतल्यान आपलें पोट भरतात आनी हाकाच लागून भारतीय चित्रपटसृश्टी ही जगांतली सगळ्यांत व्हडली फिल्म इंडस्ट्री थारता. आयज देशांत वेगवेगळे कडेन आमकां चित्रपट इंडस्ट्री दिसतात. दक्षीण, उत्तरेक, पश्चिमेंक आनी पुर्वेक अश्या पुराय नकाशाचेर आमकां चित्रपट इंडस्ट्री पळोवपाक मेळटात. सगळ्यांक म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार, आयज आमी ह्या सगळ्यां इंडस्ट्रीं केडन वेगळे म्हण पळयलें जाल्यार लेगीत हांगां काम करपी सगळे एक आसात. तांचे मदलो एकचार आनी एकवट वेगळो ना. कांय म्हत्वाच्यो भारतीय चित्रपट इंडस्ट्री अश्यो आसात.

1. बॉलीवूड
2. कॉलीवूड
3. टॉलीवूड
4. मॉलीवूड
5. सेंटलवूड

ह्यो जरी 5 आमकां सगळ्यांत वयर पळोवपाक मेळटा आसल्यो जाल्यार लेगीत हे इंडस्ट्रीनी जावपी काम आमी आडनदर करपाक शकनात.

### 2.2.1 बॉलीवूड चित्रपटसृश्टी

आमी ल्हान आसतनाच्यान चित्रपट पळयत आयल्यात आनी सगळ्यांत पयली आमी चित्रपट पळयतात तो म्हणल्यार बॉलीवूड चित्रपट. बॉलीवूड म्हणल्यारच हिंदी चित्रपट सृश्टी.

ब़ॉलीवुड हें हिंदी सिनेमा खातीर एक जोडनांव (Abbreviation) आसा. मायानगरी मुंबय हांगां आमकां हिंदी सिनेमाचें अस्तित्व मेळटा आनी बॉलीवूड नांव तातूंतल्यान आयलां. मुंबयचें आदलें नांव बॉम्बे आनी तेन्ना हॉलीवुडान चित्रपट तयार जाताले. तेन्ना बॉम्बेचे 'बॉ' आनी हॉलीवुडांतलें 'लीवूड' हें एकठांय केलें आनी ताचें बॉलीवूड अशें जालें.

1934 वर्सा हिमांशू राय हांणी 'बॉम्बे टोकीज' हें चित्रपट घर सुरू केलें आनी ताका लागून बॉलिवूड सिनेमांक एक वेगळी वळख आनी गती मेळ्ळी. राजकारण, समाजीक विशय, मिथक अश्या साबार विशयांचेर चित्रपट हांगां तयार जाल्ले पळोवपाक मेळटात. हिंदी चित्रपट सदांच आपल्या फोटोग्राफी आनी नाच दिग्दर्शना खातीर फामाद आसात.

अमिताभ बच्चन, देवानंद, राज कपुर, राजेश खन्ना, किशोर कुमार सारक्या नटांनी ह्या इंडस्ट्रीक एक उंचेली सुवात दिल्या. तशेंच मदर इंडिया, सलाम बॉम्बे, मुगले ए आझम सारक्या

चित्रपटांनी वेगळो प्रेक्षक तयार केला. आयज हिंदी चित्रपट पळोवपी प्रेक्षक वाडिल्ल्या कारणान साबार चित्रपट ऑनलायन येवपाक लागल्यात आनी हें चड प्रमाणांत आमकां कॉवीड - 19 महामारीच्या वेळार जाल्लें पळोवपाक मेळटा.

## 2.2.2 कॉलीवूड चित्रपटसृश्टी

'कॉलीवूड' म्हणल्यार तामील फिल्म इंडस्ट्री. खूब लोकांक तामील म्हणल्यार 'टॉलीवूड' कशें दिसता पूण तें तशें ना. बॉलीवूडाच्या उपरांत सगळ्यांत आर्विल्ली इंडस्ट्री म्हण तिचें नांव आसा तशेंच देशांत दुसऱ्या क्रमांकाचेर आशिल्ल्याचो मान तिका आसा. फामाद नट रजनीकांत ह्या इंडस्ट्रींत काम करता तशेंच आनीकय साबार नामवंत कलाकार हांगां सक्रीय आसात.

1918 वर्सा किच्चक्का वड्डम ह्या चित्रपाटांतल्यान ह्या इंडस्ट्रीची सुरवात जाली. आयज लेगीत हांगां चित्रपट लागता तेन्ना सगळे फिल्म मोगी गर्दी करून चित्रपट पळोवपाक येतात. इतलो मोग आनी मान आपल्या भाशेखातीर आमकां थंय पळोवपाक मेळटा.

ह्या इंडस्ट्रींतले साबार चित्रपट आमकां एकतर नव्यान हेर भासांनी तयार केल्ले पळोवपाक मेळटा वा तांचें डबींग[6] करतात.

### 2.2.3 टॉलीवूड चित्रपटसृश्टी

'टॉलीवूड' म्हणल्यार तेलगू फिल्म इंडस्ट्री. ह्या इंडस्ट्री कडेन रामोजी फिल्म सीटी ह्या नांवांन स्वताचो सगळ्यांत व्हडलो फिल्म स्टुडियो आसा. ह्या इंडस्ट्रींतले चडशे चित्रपट दुसऱ्या भाशेंत डब केल्ले आमकां पळोवपाक मेळटात आनी चड करून हिंदी भाशेंत.

'बाहुबली' ह्या चित्रपटाच्या उपरांत ह्या इंडस्ट्रीक एक वेगळीच नामनां मेळिल्ली आसात. हिंदी चित्रपटसृश्टी गाजोवपी चित्रपट 'कबीर सिंग' हो खरो टॉलीवूड फिल्म अर्जून रेड्डी जावन आसा.

ह्या इडस्ट्रींतले लोकांनी साबार नामनां मेळयल्यांत तातूंतली दोन म्हत्वाची म्हणल्यार दसरी नारायण राव हांणी 100 परस चड चित्रपट दिग्दर्शीत केल्यात जाल्यार ब्रह्मानंद्म ह्या नटान एकाच भाशेन 1000 परस चित्रपटांनी अभिनय केला.

### 2.2.4 मॉलीवूड चित्रपटसृश्टी

'मॉलीवूड' ही केरळाची फिल्म इंडस्ट्री जावन आसा जी मल्ल्यालम भाशेंत चित्रपट तयार करता. तांचो प्रेक्षक वर्ग कमी आसलो जाल्यार लेगीत तांची चित्रपट तयार करपाची उमेद दोळे दिपकावपी जावन आसा. 'माय डियर कुट्टीचंत्तन' हो तांचो पयलो 3डी चित्रपट जावन आसा.

मल्ल्यालम भाशेंत तयार जावपी दर एक चित्रपट दुसऱ्या भासांनी वता आनी जसो मल्ल्यालमांत ताका प्रतिसाद मेळ्ळा तितलोच बरो हेर भासांनी लेगीत मेळटा.

### 2.2.5 सेंडलवूड चित्रपटसृश्टी

'सेंडलवूड' हें कन्नड फिल्म इंडस्ट्री खातीर नांव आसात. ही बेंगलौरांत आसा. तिचें खरें नांव कन्नड भाशेंतल्यान 'चंदनावना' अशें जाता म्हणल्यार 'सेंडलवूड'. ह्या इंडस्ट्रींतले साबार चित्रपटांक राष्ट्रीय पुरस्कार फावो जाल्ले आसात. तशेंच ह्या इंडस्ट्रींत तयार केल्लो 'के. जी. एफ - 2' हो चित्रपट तयार करपाक सगळ्यांत चड पयसो लागिल्लो आसा. इतलेंच न्हय जाल्यार उपरांत लोकांनी ताका तितलोच उखलून धरिल्लो आसा. ही चित्रपटसृश्टी आपले संस्कृतीक आनी समाजीक लागणूकेक लागून फामाद आसा.

### 2.3 आयज भारतीय चित्रपटाची स्थिती

आयज भारतीय चित्रपटाची स्थिती पळयता आसतना आमकां एका मनशान सुरू केल्ली ही इंडस्ट्री आयज लाखांनी लोकांच्या घरांत चूल पेटोवपाक आदार करता हे दिसता. आदल्या काळार ब्रिटीश अधिकारी वा सैनीक भारतांत रावताले आनी तांच्या मनोरंजना खातीर म्हण चित्रपट

भारतांत येताले. ते पळोवपाक फक्त ब्रिटीश लोक आनी कांय भारतीय श्रीमंत लोक वताले. तातूंत राजा, उद्योजक, व्हड अधिकारी आसताले.

दादासाहेब फाळके हांणी तो चित्रपट भारतांतल्या दर एका मनाशाक पळोवपाक मेळचो म्हण काम केलें. भारतीय लोकांक तशेंच हेरांक चित्रपट कसो तयार जाता? वा चित्रपट म्हणल्यार कितें? हें सांगलें आनी भारतीयांक चित्रपटाची गोडी लायली.[7]

तातूंतल्यान नाटक आनी लोकवेदाकडेन संघटीत आशिल्लो हो भारतीय प्रेक्षक चित्रपटाकडेन रंगपाक लागलो. भारतियांक तांच्या मनोरंजनाखातीर आनीक एक साधन जोडिल्लें. पूण 'थियटर' हो विशय भारताच्या सगळ्या वाठारांनी पावप शक्य नाशिल्ल्या कारणान लोकांनी गांवच्या पड्ड्यांचो वापर केल्लो आनी म्हयन्यांतल्यान एकदां ताचेर गांवांत चित्रपट दाखोवपाची रीत सुरू केली. ह्या वेळार गांवांतलो दर एक मनीस थंय येतालो. म्हायती प्रमाण हे चित्रपट दाखोवपी एक वेगळोच पंगड आसतालो जो गांवांगांवांनी भोंवतालो.

काळांतरान रितसर 'थियटर' आयलें तेन्ना लेगीत चित्रपट पळोवपाक लोक सहज थंय पावनासले. तांकां म्हयने लागताले. देखीक गोयांत काणकोण वाठारांत रावपी मनश्याक जर चित्रपट पळोवपाक जाय जाल्यार शिम हुपून कारवार वच्चो पडटालो. ते भायर थंय चित्रपट रिलीज जातकच 2 म्हयन्यांनी येतालो.[8]

भारतीय चित्रपटाची सुरवात जातना 'ब्लेक ऍण्ड वायटान' म्हणजेच कृष्ण - धवन पद्‌दतीन सुरू जालो. पूण काळांतरांत रंग आयिल्ले कारणान चित्रपट लेगीत रंगीत जावपाक लागले. एक बदलतो काळ आमकां ह्या काळखंडांत पळोवपाक मेळटात. उपरांत थोड्या तेंपान केमेरांचो बदल जालो आनी 4के तंत्र आशिल्ले केमेरा येवपाक लागले. 2019 वर्सा जेन्ना कॉवीड महामारी आयलो तेन्ना भारतीय चित्रपटाक खंड पडलो. संवसारीक महामारीक लागून चित्रपट घरांत वचापक मनाय आशिल्ले कारणान चित्रपट तयार जावपाचेच बंद जाले आनी हें फक्त भारतीय चित्रपटांच न्हय तर पुराय संवारांत जालें.

त्या वेळार ऑनलायन माध्यमांतल्यान चित्रपट लोकांमेरेन पावोवपाचें काम सुरू जालें. ह्या काळांत चड म्हत्वाचें आशिल्लें तें म्हणल्यार दुखेस्त आनी भंय पातळिल्ल्या वातावरणांत जाता तितलो हांसो वा एन्टरटेंटमेंट लोकांक दिवपाचो आनी तें भारतीय चित्रपटांत खूब प्रमाणांत जाल्लें आमकां पळोवपाक मेळटा. लोक चित्रपट घरांत वाचपाचे बंद जाल्ले कारणान भारतीय चित्रपट आमकां घरा बशिल्ले कडेन ऑनलायन माध्यमांतल्यान पळोवपाक मेळ्ळो. म्हत्वाचे म्हणल्यार एमजोन प्रायम आनी ह़ॉटस्टार सारक्या ऑनलायन प्लेटफोर्मानी आमकां ते सगळे चित्रपट घराच बशिल्ले कडेन पळोवपाक दिले.

आयच्या चित्रपटाची खाशेलताय म्हणल्यार पयलीं चित्रपट फकत चित्रपटघरांत दाखोवपा खातीर म्हण तयार करताले पूण जेन्ना ऑनलायन प्लेटफोर्म (OTT) आयला तेन्नाच्यान भारतीय चित्रपट आतां ऑनलायन प्लेटफोर्मा खातीरच म्हण तयार करपाक लागल्यात तो खंयच्याच चित्रपट घरांनी दाखयनात.

आयज लोकांक चित्रपटघरांत वचून पळोवचे परस आपल्या घरांत पळोवप चड सोपें जालां कारण तो तें आपणाक जाय तेन्ना जाय तशें पळोवपाक शकता. चित्रपट घरांत वचून एकाच वांगडा 3 वरां घालोवची परस तो घरा बशिल्ले कडेन जाय तेन्ना आनी जाय तितले फावट पळोवपाक शकता. हाचीच एक देख म्हणल्यार हालींच आयिल्लो चित्रपट '12 फेल' चित्रपटघरांत आयिल्लो तेन्ना चड कोणेंच पळोवना आनी तो केन्ना येवून गेलो हाचो कोणाक पत्तो लागूना पूण जेन्ना तो ऑनलायन आयलो तेन्ना त्या चित्रपटाची चर्चा घरांघरांनी जावपाक लागली आनी ताका बरी प्रसिध्दी मेळ्ळी कारण तितल्याच तांकिचो तो चित्रपट आसा.

आयज भारतीय चित्रपट फक्त मनोरंजन नासून एक संदेश पावोपाचें माध्यम जाल्लें आसा. संवसारांत जाल्ल्या घडामोडीचो आंवाठ सांगपी साधन जाल्लें आसा. देखीक कांय वर्सा फाटीं 'उरी' जाल्ल्या आतंकवादी हमल्यांत भारतीय सेनेंतले जवनांक पाकिस्तानी आतंकवाद्यांनी न्हिदील्लेकडेन मारिल्ले. ह्या हमल्याक जाप म्हण

भारतीय सेनेन पयलेच फावट पाकिस्तांत घुसून तांचें चार आतंकवादी अड्डे काबार केल्ले. ह्या हमल्याचेर आदारीत उरी नावाचो चित्रपट तयार करून आतकांवाद्यांच्या हमल्याक कशे तरेन जाप दिल्ली हें दर एका भारतीयांक कळपाक पावलें.[9]

आयचो प्रेक्षक भारतीय चित्रपटाकडेन पळयतना वेगळे नदरेन पळयता. आदल्या काळार वेंचीक प्रेक्षक आसतालो. म्हणजे हिंदीचो वेगळो, कन्नड वेगळो, तामिळ वेगळो पूण आयज तशें ना आयचो प्रेक्षक आपणाक बरो चित्रपट कोणाकडल्यान मेळटा हें पळयता. ताका भाशेंचें बंदन तो घालना, फक्त बंदन घालता तें बऱ्या चित्रपटाचें आनी हाची जाणीव चित्रपट तयार करपी दर एका व्यक्तीक आसा आनी त्या नदरेन तो चित्रपट तयार करता.

एकंदर आयज भारतीय चित्रपटाची स्थिती समादानकारक आसा अशें म्हणपाक सुवात आसा.

## <u>संदर्भ वळेरी आनी टिपो</u>


(1) (https://en.wikipedia.org/wiki/Cinema_of_India)

(2) https://www.theguardian.com/film/2013/jul/25/birth-indias-film-industry-movies-mumbai

(3) https://en.wikipedia.org/wiki/Watson%27s_Hotel

(4) https://en.wikipedia.org/wiki/Taj_Mahal_Palace_Hotel

(5) https://www.theguardian.com/film/2013/jul/25/birth-indias-film-industry-movies-mumbai

(6) डबींग; डबींग म्हणल्यार एका भाशेंत आशिल्लें फिल्म परत चित्रीकरण करिनासतना दुसऱ्या भाशेंत फक्त ताचो आवाज परत रेकॉर्ड करप.

(7) परेश मोराक्शी हांणी दिग्दर्शीत केल्लो 2009 वर्साचो 'हरिशचंद्राची फेक्टरी' हो चित्रपट

(8) श्री. दत्तप्रसाद अग्नी हांची मुलाखत 06 मार्च 2024 ह्या दिसा मडगांव घेतिल्ली

(9) आदित्य धार हांणी दिग्दर्शीत केल्लो 2019 वर्साचो 'उरी' हो चित्रपट

(10) https://www.businessoutreach.in/film-industry-in-india

(11) https://en.wikipedia.org/wiki/Film_industry

(12) https://www.statista.com/topics/2140/film-industry-in-india/

# प्रकरण 3

## 3. कोंकणी समाज आनी भारतीय चित्रपट

3.1 कोंकणी समाज

3.2 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लो कोंकणी समाज

3.3 चित्रीत केल्ल्या समाजाचे आनी खऱ्या कोंकणी समाजाचो तुलनात्मक अभ्यास

# 3. कोंकणी समाज आनी भारतीय चित्रपट

## 3.1 कोंकणी समाज

'कोंकणी समाज' म्हणटात तेन्ना सगळ्यांत पयलीं आमच्या मुखार येता तें गोंय कारण हांगाच आमकां हो समाज चड प्रमाणांत पळोवपाक मेळटा. पूण आमी हें विसरपाक जायना तें म्हणल्यार कोंकणी समाज म्हणल्यार फक्त गोंय नासून पुराय कोंकण वाठार आसा जो वसई, मुंबय हांगां सुरू जाता आनी केरळांतल्या कोची मेरेन सोंपता.

भारत देश स्वातंत्र जाल्लो तेन्ना दुर्देवान गोंय पुर्तूगेजांच्या हुकूमशायेंत आशिल्लें. भारताच्या स्वातंत्र्याच्या 14 वर्सां उपरांत गोंयाक मुक्ती मेळ्ळया आनी हाकाच लागून कोंकणी प्रदेशाचें एक वेगळें राज्य जावपाक जाय आशिल्लें तें जालें ना. हाका राजकीय वा इतिहासीक कारणां दिवप सोपें जातलें पूण अशें जाल्ले कारणान आमच्या भाशेचें आनी समाजाचें व्हड लुकसाण जालां हें लेगीत तितलेंच खरें. हो अभ्यास करता आसतना आंवाठाची मर्यादा दवरून गोंयांत रावपी कोंकणी समाजाक नदरे मुखार दवरून प्रस्तूत विशय मुखार व्हेलो.

कोंकणी समाज हो दर्याच्या किनारपट्टेर रावपी, समादानान तशेंच सुसेगाद जिवीत जगपी समाज. सकाळचो च्या वांगडा तोर्राद पाव आनी

भाजी, दनपारचें नुस्त्या हुमण आनी शीत आनी वांगडा एक बांगडो मेळ्या म्हणटकच तो खोशी. बांगडो मागीर तळिल्लो आसूं वा हुमणांतलो.

गोंयांतलो कोंकणी समाज हिंदू आनी क्रिस्तांव अश्या दोन समाजांनी वाटून गेल्लो आसलो तरीय लेगीत 1560 वर्सा जेन्ना धर्मांतर आरंभ जालें तेन्ना साबार हिंदू लोकांक मनाविरोध रातोरात क्रिस्तांव जावचे पडले आनी हाकाच लागून देशांत केदोय व्हडलो धार्मीक वाद विवाद जालो जाल्यार ताचो परिणाम गोंयचेर केन्नाच जायना. आमचे जाण्टेले सांगतात तशे “आमी कोणा कडेन झगडटले? शेजारचो क्रिस्तांव म्हजो एका तेंपार भाव आनी दोगूय भावां मदीं झगडी कशी करप?”

कोंकणी समाज म्हणटात तेन्ना तातूंत जेवण, संस्कृती, दायज आनी साबार गजाली एकाच कडेन येतात. गोंयकार कोंकणी समाज सुशेगाद जरी आसलो तरी तो आळशी ना. तो सदांच आपणाकडेन आसा तातूंत सुखी आनी समादानी आसता. 8 दीस घराच्या भायर आसलो जाल्यार 2 दीस मुजरत घरा रावपा वचपी तो कोंकणी समाज आसा जाका आपल्या मातयेचो वास सदांच ताच्या श्वासान खेळिल्लो जाय आसता.[1]

गोंयकार कोंकणी समाज म्हणल्यार मांडार खेळपी धालो आनी आंगणात नाचपी गोफ, घुमटाच्या नादान नाचपी जागोर आनी बांयत बुचकाळपी सांजाव. आमकां गोंयकारांक सैमाच्या गोपांत गेल्ल्या शिवाय

खंयचोच सण सादर करपाक येना. कोंकणी समाज आशेचो, ताका खूब आसा. पूण ती आस पयशांची न्हय, ही आस मनशाची, ही आस मायेची, ही आस सैमाची आनी ही आस नात्याची आनी देखूनच गोंयकार वा एकंतर कोंकणी समाजाक समजप हें सदांच कठीण कारण तोंडांवयलो हांश्यान काळजांतलो घाव कसो लिपोवप तें हो समाज भेस बरो जाणा.

### 3.2 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लो कोंकणी समाज

गोंयची सोबीत दर्यावेळ, पांचवीचार झाडां, उंच दोंगर, अटंगी रानां आनी दोळ्यांक थाकाय दिवपी अशी पुर्तुगेज बांदावळीचीं घरां. ह्या सुंदरतायेचो भाग कोणाक पळोवपाचो आसना? आनी तो जर चित्रपटांत येता जाल्यार कोणाक आवडचो ना?

गोंय हें एक पर्यटनस्थळ म्हण पुराय विश्वाचें लक्ष केंद्रीत करता आनी तेंच गोंय आतां फक्त पर्यटनस्थळ उरनासतना चित्रपटाचें एक मुखेल अशें शुटींगस्थळ जालां जंय भारतांतले साबार चित्रपट दिग्दर्शक आपल्या चित्रपटाचें शुटींग करतात.

एका नदरेन पळोवपाक गेल्यार आमचें गोंय चित्रपटाच्या माध्यमांतल्यान लोकांमेरेन पावता. भारतीय चित्रपटांत आयिल्लो कोंकणी समाज फक्त समाजा पुरतो मर्यादीत उरना तातूंत संगीत येता, साहित्य येता, कलाकार येतात, भास येता, वाद्यां येतात आनी संस्कृती येता.

1510 वर्सा गोंयचेर पुर्तुगेज राज्य करपाक लागले. 450 वर्साच्या राजवटींतल्यान 1961 वर्सा गोंय मुक्त जालें पूण तांचे संस्कृतीक प्रभाव गोंयकारांचेर उल्लो. ही संस्कृतीक बांदावळ लेगीत आमकां भारतीय चित्रपटांत पळोवपाक मेळटा देखीक नामनेचे बॉलीवुड दिग्दर्शक संजय लिला बंसाली हांचो 'गुजारीश' हो चित्रपट गोंयांतल्या पुर्तुगेज संस्कृतीचेर आदारीत आसा आनी ताचे शुटींग लेगीत गोंयान जालां.[2]

कोंकणी समाजांतलें चड कितें भारतीय चित्रपटांत पळोवपाक मेळाटा जाल्यार तें संगीत. साबार गोंयकार भाव मुंबय वादक म्हण काम करताले आनी ताका लागून तांचो आसपाव आमकां चित्रपटांत पळोवपाक मेळटा. एक उल्लेख मेळटा, तो म्हणल्यार हिंदी चित्रपटांतल्या संगीतकारांक पाश्चात्य संगीताचे ताल बरोवपाक कळनाशिल्ले ताका लागून तांकां गोंयकार संगीतकारांचो आदार लागतालो. गोंयकारांक इगर्जेंत संगीताचे ताल तयार करपाची सवंय आशिल्ले कारणान तो ते तयार करपाक शकतालो, पूण त्या संगीतकारानी गोंयकारांचें नांव केन्नाच फुडें काडलें ना आनी आपले पोदांच तांकां चिड्डोन दवरलो.

## 3.3 चित्रीत केल्ल्या कोंकणी समाजाचो आनी खऱ्या कोंकणी समाजाचो तुलनात्मक अभ्यास

गोंय हें आदीं फकत एक पर्यटनस्थळ म्हूण फामाद आशिल्लें. कांय वर्सां फाटी मेरेन हांगां गोंयांत फक्त अंतरराष्ट्रीय पर्यटक चड

येताले. पूण आयज तशें ना गोंय हें फक्त पर्यटन स्थळ उरिनासतना एक चित्रपटांचें प्रमुख सुवात जाल्या. गोंयचो सैम, संस्कृची आनी हेर गजाली आतां आपल्या फिल्मान आसचें अशें दर एका दिग्दर्शकाक दिसपाक लागलां.

गोंय चित्रपटांत येता तेन्ना हांगचो सैम, संस्कृती, खाणां - जेवणां, मनीस अश्यो साबार गजाली सांगाता येतात. पूण जें येता तें पुरायपणान सत्य आसता काय? आमी केन्ना खंयचाय गोंयकाराक दीसरात फ्कत सोरो पिता तो पळयला? आमी केन्ना गोंयकारांक फुलां फुलांचें कपडे घालून फक्त दर्यार भोंवतात तें पळयलां? गोंयकारांक दर्या आवडटा हाचो अर्थ असो न्हय की गोंयकार थंयच उडटा - बसता.

**'तुज तूं आनी माझ मी'** ह्या नांवाचो एक मराठी चित्रपट आसा. ह्या चित्रपटांत चली घरा सांगनासतना गोंयांत धांवून येता आनी फाटल्यान आवयक कळटकच आवय काचाबूल जाता. हें जावप स्वाभावीक हाचेर म्हजी कांयच हरकत ना पूण उपरांत ती एक वाक्य म्हणटा "अरे देवा ही अशी का गेली? आनी ते पण गोव्याला? तुम्हाला माहीत आहे ना गोवा कसा आहे त्यात ही मुलगी" म्हणजे कितें? गोंय पर्यटन सुवात म्हण वा गोंयांत रावपी सुरक्षीत ना वा दिग्दर्शकाक गोंयकार सुरक्षीत दिसनात. मागीर सगळ्यांत सुरक्षीत राज्य म्हण गोंयाक पुरस्कार कसो मेळटा तर?

फाटी अंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवांत एका इश्टाकडेन उलयतालो. तो नाशीकचो आनी गोंयांत पयलेच फावट आयिल्लो. ताचे पयली ताणें गोंय हें फक्त चित्रपटांत पळयिल्लें. हांगां येतकच ताका खरें गोंय कितें आनी चित्रपटांत तें कशें दाखयतात हाचो फरक कळ्ळो. आतां तो गोंयांत आयलो म्हण बरें जालें ताची नदर बद्‌दल्ली पूण लक्षांत घेवपाची गजाल म्हणल्यार कांय लोक फक्त चित्रपट पळोवन गोंयांत येवपाचें ताळटात.

चित्रपटां खातीर गोंय एक सादें आनी सोपें साधन जालां कोणूय येता आनी ताचीं फकाणां करता. केन्ना कोण तांकां कांय विचारी ना आनी तांकां बदल करपाक सांगना. कायद्‌या प्रमाण चित्रपट शुटींग करतलो जाल्यार फावो ती पर्मिशन्स घेवची पडटात आनी गोंयांक सगळ्यांत चड म्हत्वाचें लागता तें म्हणल्यार ई.एस.जी. म्हाका दिसता ई.एस.जी हांगां बंदी घालपाक जाय. चित्रपट तयार जातकच तो ई.एस.जी पळोवपाक जाय आनी गोंयच्या बद्‌दल वायट गजाल दिसता जाल्यार ती काडपा लावपाक जाय आनी अशें केलें जाल्यारच आमकां गोंयची खरी सुंदरताय चित्रपटानी पळोवपाक मेळटली.

# <u>संदर्भ वळेरी</u>

(1) https://en.wikipedia.org/wiki/Konkani_people

(2) https://www.holidify.com/pages/movies-shot-in-goa-3123.html

(3) Booth, Gregory D. *Behind The Curtain*. New York: Oxford University Press, 2008.

(4) Jagtap, Ahsok. *The Golden Era of Hindi FIlm Music*. MI,USA: Professor Toofani Publishers, 2022.

# प्रकरण 4

## 4. भारतीय चित्रपटांतलें कोंकणी संगीत

4.1 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी संगीत आनी संगीतकार

4.2 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी लोकसंगीत

4.3 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी वाद्यां

# 4. भारतीय चित्रपटांतलें कोंकणी संगीत

## 4.1 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी संगीत आनी संगीतकार

कोंकणी संगीत म्हणटात तेन्ना आमच्या दोळ्यांमुखार सगळ्यांत पयलीं येता तें म्हणल्यार 'बेबदो' सारकीं कातारां वा 'चान्न्याच्या रातीं' सारकीं गितां. ह्या गितांनी कोंकणी समाज आनी संगीत एका वेगळ्याच उंचायेर व्हेला. कितल्याश्याच कोंकणी संगीतकारांनी कोंकणी संगीत जगोवपाक मोलाचो वांटो दिल्लो आमकां पळोवपाक मेळटा.

कोंकणी संगीत म्हणटा आसतना आमी गोंयांत तयार जावपी संगीता पुरतें मर्यादीत रावपाक शकनात. कोंकणी संगीत आनी संगीतकारांनी भारतीय चित्रपटांत लेगीत मोलाचें योगदान दिलां आनी खेरीतपणान बॉलीवूडांत.

बॉलीवूडांत फक्त शास्त्रीय संगीत आशिल्लें. जंय गीतकार गीतां बरयतालो आनी संगीतकार ताका शास्त्रीय संगीत दितालो. नामनेचे संगीतकार एन्थनी गोन्साल्वीस ह्या गोंयकार संगीतकारान बॉलीवूड संगीताक एक वेगळो आयाम दिलो, एक वेगळी दिशा दिली आनी पाश्चात्य संगीताच्या माध्यमांतल्यान बॉलीवूड संगीत गाजयलें.[1]

कोंकणी संगीतान वेगवेगळे आयाम आनी मोडी पळयिल्लो आसात. कोंकणी संगीत पयलीं तयार जाल्लें तें कोंकण वाठारांत आशिल्ल्या

लोकवेदाचेर, 'हांव सायबा पलतडी वता', 'वयल्या वयल्या दोंगरार' सारक्या देखणी नाचांच्या गितांनी कोंकणी संगीताची वळख घडयली.

कोंकणी संगीत म्हणजे कितें जाल्यार, कोंकणी वाठारांत कोंकणी मनशांनी कोंकणी लोकांखातीर तयार केल्लें संगीत म्हणल्यार कोंकणी संगीत. काळांतरान हें आमचें कोंकणी संगीत फक्त कोंकणी लोकांखातीर वा कोंकणी वाठाराखातीर मर्यादीत उरलें ना आनी तें भारतीय चित्रपटांची वळख जालें, खासाकरून बॉलीवूड चित्रपटाचें.

जसो पयलीं उल्लेख आयला, बॉलीवूड चित्रपटांत पयलीं पाश्चात्य संगीत नाशिल्लें आनी तें हाडपी कांय कलाकारां मदलो एक म्हणल्यार गोंयकार एन्थनी गोन्साल्वीस. एन्थनी गोन्साल्वीस हे एक वायॉलीन वादक आशिल्ले. तांणी साबार हेर संगीतकारांक वायॉलीन शिकयिल्लें आनी थंयचे लोक तांकां गुरू मानताले. "प्यारेलालजी को वायलीन सिखाने वाले एन्थनी जी थे और वो हमेशा गर्व से उनको अपना शिष्य मानते है" - अमर हलदीपूरा (प्यारेलाल हांकां वायॉलीन शिकोवपी एन्थनी गोन्साल्वीस आशिल्ले आनी ते अभिमानान आपल्याक तांचो विद्यार्थी मानतात.)

फामाद चित्रपट अमर, अकबर, अँन्थनी हातूंतलें गाणें 'माय नेम इझ अँन्थनी गोन्साल्वीस' हें नांव पयलीं वेगळें आशिल्लें आनी प्यारेलाल शर्मा हांणी तें दिगदर्शकाक विनवणी करून आपल्या गुरूच्या नांवांन

बदलपाची मान्यताय घेतिल्ल्याचें बॉलीवूड चित्रपटाच्या इतिहासांत नोंद जालां.

कितलीशींच वर्सां आनी उपरांत लेगीत कोंकणी संगीत आनी कोंकणी संगीतकारांची हुकूमशाय बॉलीवूडांत आशिल्ली आनी हाचो दुस्वास थंयच्या कलाकारांक जावपाक लागलो. गोंयकार सुशेगाद अशें आमी सदांच म्हणटात हाचो फायदो त्या कलाकारांनी घेतलो आनी इल्लो इल्लो करून कोंकणी कलाकारांचो जागो तांणी बळकायलो.

कोंकणी वादक कलाकार सदांच आळशीपणा करताले, एकदां रेकॉर्ड जालें कांय पुरो फुडलें फुडें पळोवया अश्या तरेन वागताले. आपणें पाश्चात्य संगीत हाडलां ताका लागून तुमकां आमचीच गरज पडटली अश्या तरेचो मनमानी कारबार ते चलयताले आनी हाकाच बेजारून एक दीस संगीत दिग्दर्शक रामप्रसाद शर्मान “आपूण गोंयकारां वांगडा काम करचो ना म्हण भायर सरलो आनी रस्त्यार मेळटा ताका तांणी उबारलो. तो हॉटेलांत काम करपी वा गेरेजींत मोटार सारकी करपी म्हण पळयलो ना. तांकां हाडून वायॉलीन शिकयलें आनी गोंयकारांचो जागो तांकां दिलो. हाचेवेल्यान म्हणू येता एका वाटेन आपले आळशेपणाक लागून गोंयकारांनी आपल्याच पायांर कुराड मारून घेतल्या.”[2]

“हांव वायॉलीन शिकतालो तेन्ना 12 - 13 वरां रियाज करतालो पूण तें गोंयकारां कडेन जायनाशिल्लें. सांजे घरा पावले की एक काजूचो

घोट मारून शीत आनी नुस्त्याच्या हुमणान जेवले म्हणटकच ते तांडून दिताले, मागीत रियाज आनी खंयच्यान करतले. हांव दिसाक रियाज करता ताच्या भायर 2-3 रेकॉर्डींग करतालो आनी दिसाक फकत 3-4 वरां न्हिदतांलो पूण गोंयकारांचें तशें नाशिल्लें ते दिसाक एक रेकॉर्डींग केल्लें काय ते घरा वचपाक वताले."[3]

गोंयकार आळशी नाशिल्लो, तो हांगां टिकलो ना. आपल्या लोकांक फुडें काडपाक गोंयकारांचो सदांच वापर केला. कितलींशींच गितां गोंयकारांनी रचलीं पूण निमाणें नांवां मात वेगळींच लागलीं आनी ह्याच सगळ्या गजालींक विटून गोंयकार हें सगळें सोडून पयस गेलो.[4]

पूण अशें आसतना लेगीत आमकां सेबेस्तियन, मंगेशकर घराबो, सेबेस्तीयन डिसोझा सारक्यानी आपल्या निमाणें श्वासा मेरेन बॉलीवूडांत योगदान दिल्लें पळोवपाक मेळटा.

आयज लेगीत हिंदी चित्रपटांतले लोक कोंकणी कलाकार आनी कोंकणी संगीताचें योगदान खूब व्हड आसा म्हण तोखणायेन सांगतात. कोंकणी संगीत आनी कलाकारांनी दिल्ल्या ह्या योगदानाक लागून आयज कोंकणी संगीत भारतीय पांवड्यार अज्रंवर आसा.

कोंकणी संगीताचो तसो उगम आमकां खंय जालो हें पळोवपाक मेळना वा ताचे पुरावे मेळनात आनी हाकाच लागून मौखीक रुपांत आमचे लोकवेद तयार जाले तेंच आमच्या कोंकणी संगीताचो उगम अशें अभ्यासाक मानतात.

कोंकणी संगीत म्हणल्यार कितें? जाल्यार कोंकणी मनशांनी, कोंकणी वाठारांत कोंकणी लोकांखातीर, कोंकणी वाद्यांच्या आदारान तयार केल्लें संगीत म्हणल्यार कोंकणी संगीत.

हाचे पयलीं आमी कोंकणी संगीताचो भारतीय चित्रपटांतलो इतिहास पळयला आनी कोंकणी संगीत आनी कोंकणी कलाकार बॉलिवुडांत कशे पावले हें लेगीत पळयलां. कोंकणी कलाकार जेन्ना थंय गेले तेन्ना ते आपले दायज घेवन गेले. आयज भारतीय चित्रपटांत आनी खेरीतपणान बॉलिवूडांत पाश्चात्य संगीताचो प्रभाव आमकां दिसता तो गोंयकारांनी थंय व्हेलो असो इतिहास आमकां थंय वाचपाक मेळटा.

म्हत्वाची गजाल म्हणल्यार, कोंकणी संगीत आनी वाद्यांचो प्रभाव तांचेर पडलो तो पडलोच पूण संगीताच्या आनी गितांच्या वांगडा कोंकणी गितांतल्यो कांय वळी लेगीत आमकां हिंदी सिनेमांनी घेतिल्ल्यो आयकपाक मेळटात देखीक : नामनेचे गीतकार भो. उदय भेंब्रे हांचें ‘आगा आगा तारया’ हें कोंकणी गीत आसा आनी त्या गिताच्या दोन कडव्यांच्या मदीं ‘उदेबाबा उदेबाब उदेय...’ असो एका वळीचो सांगात दिवन ताका एक कोंकणी संगीताक वेगळे तरेचो आयाम दिवपाचो यत्न केला. पूण हीच वळ आमकां ‘मुजसे शादी करोगी’ ह्या हिंदी चित्रपटांत लेगीत पळोवपाक मेळटा आनी हो मुद्द्म घाल्लो आसपाक जाय कारण ह्या चित्रपटाचें पुराय घटना ही गोंयांत जाता अशें चित्रीत केलां म्हणजें गोंय

दाखोवपाक आमचें संगीतच न्हय तर गितांच्या मदीं येवपी वळी जाकां आमी ‘फिलर्स’ म्हणटात तांचो लेगीत वापर जाता.

कोंकणी संगीतकारांनी बॉलिवूडाखातीर संगीत तयार करता आसतना मुखेलपणान तांचें काम आसतालें तें म्हणल्यार गिताच्या सुरवातेचो भाग तयार करप आनी उपरांत दोन कडव्यां मदलो भाग. हें करून थंय आयिल्ल्या वाद्य कलाकारांखातीर नोटेशन्स तयार करप जें गोंयकार सोडून आनीक कोणाक येनाशिल्लें. पूण कोंकणी संगीतकारांनी आपलें संगीत रचताना गोंयचो आनी कोंकणीचो कितें तरी वांटों तातूंत येतलो हाची दखल घेतली कारण हाचे शिवाय तांकां आनीक कसलेंच नांव मेळनाशिल्लें, तांचो उल्लेख लेगीत जायनाशिल्लो. हाचीच एक देख म्हणल्यार फामाद गीत ‘इना मिना डीका..’ ह्या गितांत मदींच ‘म्हाका नाका म्हाका नाका’ अशीं उतरां येतात. ह्या गिताचें संगीत तयार करपी गोंयकार आनी फामाद बाझ वादक चिक चॉकलेट म्हणल्यारच एन्थोनियो झेवियर वाझ आशिल्ले पूण दुर्देवान तांच्या नांवाचो फाव तितलो उल्लेख जाल्लो मेळना.

## 4.2 भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी लोकसंगीत

कोंकणी संगीताचो उगम कोंकणी भाशेच्या मौखीक साहित्यांतल्यान जाल्लो आसा. ‘कोंकणी संगीत’ असो वेगळो कोणेंच केन्ना सोद लोयलो ना. आमच्या जाण्टेल्यांनी धालांच्या मांडार, जागोराच्या खेळांत आनी

तिनसांजेर आपलेंच मनोरंजन करपाक तयार केल्ली लोकगितां आमकां आयकपाक मेळटात. लोकांनी लोकांच्या मनोरंजनाखातीर तयार केल्ली हीं सगळीं लोकगितां. तीं कोणें रचलीं वा तीं कोणें बरयली हाचो कांयच हिशोब लागना.

कोंकणी मनीस भायर वता आसतना आपली संस्कृती आनी दायज घेवन वांगडा वता. कोंकणी मनीस गोंयां भायर वता आसतना आपली माती आनी मातेयेचो वास सांगाता घेवन वता अशें म्हणल्यार अतिताय जावंची ना. कोंकणी संगीतांत लेगीत तेंच जालें. गोंयचो कलाकार जेन्ना मुंबय गेलो (तेन्नाचें बॉम्बे) तेन्ना तो आपल्या सांगातान आपलें लोकसंगीताचें दायज घेवन गेलो. संगीत रचता आसतना तांणे कोंकणी मातयेचो वास जोडलो आनी तीं गितां लोकप्रीय केलीं. अश्या तरेन कोंकणी संगीत जेन्ना भारतीय चित्रपटा कडेन पावलें तेन्ना भारतीय चित्रपटांत आशिल्ल्या हेर संगीतकारानी कोंकणी कलाकारांक घेवन आपल्या गितांनी कोंकणी संगीताचो श्रृंगार चडोवन तीं गितां आपल्या नांवांर खपयलीं.

'मुन्ना बडा प्यारा... अम्मी का दुलारा..' हें सलील चौधरी हांणी संगीत दिल्लें आनी किशोर कुमार हांणी गायिल्लें फामाद गीत. पूण ह्या गिताची चाल आमच्या लोकवेदांतल्यान घेतल्या. कोंकणी लोकवेदांतलें फामाद दुल्पद 'हुंदरा म्हज्या मामा.. आनी हांव सांगता तुका..' हें तर

कितलीशींच दसकां आदीं तयार जाल्लें गीत जाचो रचनाकार सुद्दा मेळप कठीण कारण ताका आमच्या दायजांत लोकगिताचो दर्जो दिला अश्या गिताची चाल तांणी घेतल्या. आमची चाल घेतल्या बरी आसा पूण खंयच मूळ चालीक वा मूळ गिताचो उल्लेख लेगीत जाल्लो ना हें एक अभ्यासक म्हूण ह्या विशयाचेर आनीक अभ्यास करपाक लागलो तेन्ना दिसून आयलें. कोंकणी संगीत आनी संगीतकारांचो जाल्लो हो बॉलिवूडकारांनी घडयल्लो अन्याय म्हणू येता.

### 4.3 भारतीय चित्रपटांत आयिल्ली कोंकणी वाद्यां

संगीतांक वाद्यांक भोव म्हत्व आसता. ती संगीताक आनी गीताक सोबाय हाडटा. कोंकणी वाद्यां म्हणटा आसतना आमी 1510 पयलींची आमचीं पारंपारीक वाद्या आनी पुर्तूगेज गोंयांत आयल्या उपरांत तांणी आपले वांगडा हाडलीं तीं वाद्यां लेगीत मतींत धरपाक जाय.

गोंयच्या पारंपारीक वाद्यां मदीं म्हत्वाचीं थारतात तीं म्हणल्यार; शामेळ आनी घुमट. हेर वाद्यांक लेगीत तितलेंच म्हत्वाचीं आसात पूण हीं दोन वाद्यां गोंय आनी गोंयकरपण दाखयतात. हिंदूंच्या शिगम्यांनी आसूं वा क्रिस्तावांच्या जागोरांनी ह्या दोनी वाद्यांचो वापर जाता आनी ताका लागून ह्या दोन वाद्यांक चड म्हत्व आसा.

उपरांत 1510 वर्सा जेन्ना गोंयांत पुर्तूगेज आयले तेन्ना ते आपल्या सांगातान पाश्चात्य वाद्यां घेवन आयले देखीक गितार,

वायोलीन, पियानो आनी ट्रंपेट. हीं वाद्यां गोंयांत येतकच गोंयकार आपल्या पारंपारीक वाद्यां वांगडा हीं वाद्या लेगीत वाजोवपाक लागलो. काळांतरान हीं वाद्यां गोंयकरांच्या जिणेचोच भाग जालीं. हाका लागून ह्या वाद्यांक लेगीत गोंयांत गोंयचीं पारंपारीक वाद्यां म्हणटात पूण अभ्यास केल्यार जाणवतात तें म्हणल्यार; तीं मूळ गोंयची न्ही.

गोंयकारांक खेरीतपणान आमच्या जाण्टेल्यांक एक खंयचें तरी वाद्य वाजोवंक येताच येता. हाका लेगीत एक इतिहास आसा. जेन्ना गोंयांत पुर्तूगेज आशिल्ले तेन्ना तांणी गोंयांत सगळ्या इगर्जींनी पाश्चात्य वाद्यां शिकपाचे वर्ग सुरू केले आनी क्रिस्तांव भावा - भयणांक तें शिकप सक्तीचें आशिल्ल्या कारण तांकां उपरांत मिस जालें कांय तें वाजोवचें पडटालें. दुसऱ्या वाटेन हिंदू भाव गांवांतल्या शिगम्यांनी वाजोवंक मेळपाक जाय म्हण जाण्ट्यां कडल्यान शिकलो.

फुडाराक तेंच संगीत आनी तींच वाद्या घेवन गोंयकार भारतीय चित्रपटांक गेल्लो आमकां पळोवपाक मेळटा. कोंकणी वाद्यांनी बॉलीवूडांतल्या संगीताक एक वेगळी दिशा दिल्या तशेंच एक वेगळो आकार दिला. गोंयकार जेन्ना मुंबय गेलो तेन्ना तो सुरवेक बेंडानी वाजोवपाक लागलो आनी थंयच्यान चित्रपटांनी.

त्या काळार संगीत वा गाणें रेकॉर्ड करतले जाल्यार सगळें एकाच वेळार एकाच सांगातान करचें पडटालें. आयच्या सारकें वेगवेगळें ट्रेक

करून तें करपाक मेळनाशिल्ले आनी त्या वेळार पाश्चात्य संगीत एकाच वेळार वाजोवपाची संवय फक्त गोंयकारांक आशिल्ल्या कारण ते बेंडांनी वाजयताले. घडये हाका लागुनूच गोंयकार बॉलीवूड चित्रपटांत पावलो. हें एक कारण आसा हाचें भायर आनीक लोक आसात जे शास्त्रीय संगीताक लागून वा आवड आसा म्हण हांगां आयिल्ले नदरेक भरतात.

‘ए दील हे मुश्कील’ असली शेंकड्यांनी गितां आसात जंय कोंकणी वाद्यांचो वापर जाला. कोंकणी वाद्यां फक्त गोंयच्या लोकसंस्कृताये पुरतीं उरनासतना तीं पुराय भारताचीं जाल्लीं ह्या कारणाक लागून जाल्लीं आसा हातून दुबाव ना.

त्या काळार कोंकणी वाद्यांक खूब मोल आशिल्लें पूण आयज तें खूब कमी जाल्लें पळोवपाक मेळटा. एका वेळार पुराय भारतीय चित्रपटसृश्टी गाजोवपी हीं वाद्यां आयज उण्या वापरांत आयल्यात हें सत्य. चवथीक आरत्यांनी आनी सांजावाक ह्या वाद्यांचो चड वापर जाता कसो दिसता पूण तो लेगीत एकाच वा दोन दिसांक.

आमची संस्कृती राखतले जाल्यार सगळें दायज, भास आनी हेर गजाली सांबाळटा आसतना आमकां आमची वाद्यां लेगीत सांबाळची पडटलीं. बॉलिवुडान तें कांय तेंप सांबाळ्यां आतां आमची पाळी आसा.

## **संदर्भ वळेरी आनी टिपो**

(1) बाड्रेय बरेटो हांची मुलाखत 26 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा मुंबय घेतिल्ली

(2) अमर हलदीपूरा हांची मुलाखत 25 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा मुंबय घेतिल्ली

(3) वयलोच संदर्भ

(4) बाड्रेय बरेटो हांची मुलाखत 26 फेब्रुवारी 2024 ह्या दिसा मुंबय घेतिल्ली

(5)https://en.wikipedia.org/wiki/Laxmikant%E2%80%93Pyarelal

(6)https://en.wikipedia.org/wiki/Music_of_Goa

(7)https://en.wikipedia.org/wiki/Music_of_Goa

(8)https://www.gomantaktimes.com/my-goa/art-culture/festive-sounds-of-goa

# प्रकरण 5

## 5. भारतीय चित्रपटांतल्या वेंचीक कोंकणी कलाकारांचें योगदान

5.1 एन्थनी गोन्साल्वीस

5.2 क्रिस पेरी

5.3 चीक चॉकलेट

5.4 आशालता वाबगांवकार

5.5 लॉर्ना कोल्देरो

5.6 आल्फ्रेड रोझ

6.7 रेमो फेर्नांडीस

# 5. भारतीय चित्रपटांतल्या वेंचीक कोंकणी कलाकारांचें योगदान

## 5.1 एन्थनी गोन्साल्वीस



एन्थनी गोन्साल्वीस हांचो जल्म 12 जून 1927 ह्या दिसा दक्षीण गोंयांतल्या माजोर्डा गावांत जालो. तांचो बापूय जुझे अन्तोन गोन्साल्वीस हे माजोर्डाच्या माय दे देऊस ह्या इगर्जेंत कॉयर मास्टर आशिल्ले. आपल्या बापाय कडल्यान संगीताचे लिसांव घेवन एन्थनी गोन्साल्वीस बॉम्बे गेलो. थंय तो हेर गोंयकार संगीतकारांच्या सांगातान रावून तांच्या बेंडानी वाजोवंक लागलो.

एन्थनी गोन्साल्वीस हे धोबी तालाव ह्या वाठारांत 'कुडींत' रावताले.[1] गोन्साल्वीस जेन्ना बॉम्बे पावले तेन्ना तांणी पयलें काम धरलें ते संगीतकार नौशाद हांचे कडेन 1943 ह्या वर्सा. उपरांत 1950 - 1960 च्या काळांत तांणी लक्ष्मिकांत - प्यारेलाल हांचे कडेन काम केलें. तांचीं त्या काळा वयलीं फामाद कांय फिल्मां म्हणल्यार,

1. वख्त

2. दिल्लगी

3. हकीकत

ह्याच काळांत तांणी फामाद संगीत दिग्दर्शक प्यारेलाल शर्मा हांकां वायोलीन वाजोवंक शिकयलें आनी ताका लागून प्यारेलाल शर्मा गोन्साल्वीसांक आपलो गुरू मानताले. आपल्या गुरूक एक मान दिवपाक तांणीं अमर, अक्बर, एन्थनी ह्या गितांत एन्थनी ह्या पात्राक ‘एन्थनी गोन्साल्वीस’ हें नांव दिवपाक सांगलें आनी ते म्हणटात ‘हो आपणें आपल्या गुरूक दिल्लो एक मान जावन आसा.’

1958 वर्सा गोन्साल्वीस हांणी ‘इंडियन सिम्फनी ऑर्केश्ट्रा’ ची स्थापना केली. ह्या ऑर्केश्ट्रांत भारतीय मूळ गोंयकार गानसरस्वती लता मंगेशकार आनी मन्ना डे मूळ गायिका आशिल्ले. ह्या ऑर्केश्ट्राचें सादरीकरण चडशें सेंट झेवियर महाविद्यालयाच्या प्रांगणांत जातालें.

1965 वर्सा एन्थनी गोन्साल्वीस हांणी भारतीय चित्रपट इंडस्ट्री सोडली आनी कांय वर्सां खातीर ते परदेशांत गेले. थंयच्यान परत गोंयांत आपल्या घरा माजोर्डा आयले आनी 2012 वर्सा तांकां मरण आयलें.

## 5.2 क्रिस पेरी



क्रिस पेरी ह्या नांवान कोंकणी संगीताची नवी वळख घडोवपी संगीतकार म्हणल्यार क्रिस्टोवम पेरेरा. तो क्रिस पेरी म्हूण फामाद आसलो. ताचो जल्म 25 नोव्हेंबर 1928 ह्या दिसा मडगांवां बोर्डा हांगां जालो. तांकां पुराय भारत “कींग ऑफ चा..चा..चा..” आनी “मेन वीथ गॉल्डन ट्रम्पेट” म्हण वळखताले. ‘ऑल इंडीयाचें’ फामाद शिर्शक गीत क्रिस पेरी हांणी तयार केलें.

क्रिस पेरी हांचो पुराय घराबो आदीं सावन संगीताच्या मळार काम करताले. तरण्या पिरायेचेरच तांणी तियात्रांनी काम करपाक सुरवात केल्ली. तांचो पयलो तियात्र म्हणल्यार ‘बाब पिंटो’. उपरांत तांणी आपले तियात्र काडपाक सुरवात केली. तांचे कांय फामाद तियात्र म्हणल्यार

1. नोशिबांतलो न्होवरो
2. पाद्रीचो लोब

3. वीड मोग कोरण्यारांचें

ते एक नामवंत ट्रंपेट आनी सेक्साफोन वाजोवपी कलाकार. तांची एक मुखेल खाशीयत म्हणल्यार गीत चालू आसतनाच ते मदींच ट्रंपेटा वयल्यान सेक्साफोनाचेर बदली करूंक शकताले. तांकां संगीतकार, संगीत वाजोवपी कलाकार म्हण लोक वळखतालेच पूण एक गीतकार म्हण लेगीत तांचीं नामनां आशिल्लीं. तांची संगीतातली फिशालकाय म्हणल्यार तांणी कोंकणी पारंपारीक संगीताक 'जेझ' संगीताचो आदार दिल्लो. एक वेगळें कितें तरी करपाचें धाडस क्रिस पेरी हांणी केल्लें आनी ताची गोड फळां आमी आयज चाकतात.

50 च्या दसकांत क्रिस पेरी हांणी आपलें एक बेंड तयार केलें आनी पुराय बेंडा वांगडा ते बॉम्बे आनी कोलकत्ता हाचे मदीं यो वच करीत आशिल्ले. एक नामवंत कलाकार जालो जाल्यार लेगीत क्रिस पेरी कोलकत्ता आल्फ्रेड हया रेस्टोरंटांत तालिमेखातीर हाजीर रावताले. तांच्या बेंडांतले म्हत्वाचे कलाकार म्हणल्यार

1. टोनी सिरील
2. डेनीस वाझ
3. जॉनी रोड्रिगीश
4. जॉनी बापतिस्टा
5. मायक मकांडो

हे सगळे कलाकार थंय बसताले आनी सांजे कोणागेर संगीत कलाकारांची गरज आसत बेंड वाजोवंक जाल्यार थंय येवन तांकां बुक करताले. तशें पळोवपाक गेल्यार ते तेन्ना दिसवड्याचें काम करताले म्हणल्यार चुकीचें थारचें ना. दर एका कलाकाराक 15 रुपया दिताले आनी धवें जेकेट घालें जाल्यार 18 रुपया.

क्रिस पेरी मुंबयच्या द ताज हॉटेलांत लेगीत चिक चॉकलेट वांगडा आपलें 'जेझ' संगीत सादर करतालो. 1960 वर्सा सावन क्रिस पेरी आनी ताचे पुराय बेंड ऐस्टोरीया हॉटेलांत वेनीस ह्या क्लबांत बेंड सादर करताले.[2]

ताच्या बेंडांतलो ड्रमर डायगो डिसोझा सांगता जो कोण क्रिस पेरीचें बेंडान येतालो तो आपली कला पुरायपणान तयार करतालो. दर एका कलाकाराचे नॉट्स पेरी आपूण तयार करतालो आनी ताका ते तशेंच वाजयल्लें जाय आसतालें. एक दीस एकल्यान एक नोट [3] चुकीचो वाजयलो जाका लागून पेरीन ताच्या दोळ्यार मुट मारून ताचो दोळो सुजलो आनी दोळ्याच्या भोवतणी काळें जालें. त्या दिसा संगीत शो आशिल्लो. पेरीन त्या कलाकाराक झेल हाडून दिलो आनी सगळ्यांक काळी वखलां लावपाक सांगली त्या दिसाच्यान तांचो लूक बद्दल्लो.

उपरांत 1970 च्या दसकांत सरकारान मनोरंजनाचेर टेक्स वाडोवन तें सुमार 40 टक्के केलें. हाका लागून बेंड चलोवप खुब त्रासदायक जालें.

क्रिस पेरी त्या वेळार बेंड बंद करून फिल्मान भितर सरलो आनी महम्मद खय्यमाखातीर ऑर्केश्ट्रा घेवपाक लागलो. फामाद ऑर्केश्ट्रा तांणी घेतिल्ले ते म्हणल्यार 'त्रिशूळ' आनी 'कभी कभी' ह्या चित्रपटाखातीर. फक्त खय्यम न्हय तर लक्ष्मिकांत - प्यारेलाल, कल्याणजी - आनंदजी, आर. डी. बर्मन हांचे खातीर लेगीत तांणी काम केलें. कोंकणींतलें पयलें कलर पिच्चर 'भुयेंरांतलो मनीस' ह्या चित्रपट काडपी संस्थेचे ते सह- संस्थापक आशिल्ले.

आपल्या कर्तुबी जिणेचो कोंकणी संगीत आनी गोंयकारांचे नांव अज्रंवर करून क्रिस पेरी हांकां 2002 वर्सा मरण आयलें.

5.3 **चीक चॉकलेट**



आन्तोनियो झेवियर वाझ म्हणल्यार नामनेचे संगीत कलाकार 'चीक चॉकलेट'. तांचो जल्म 1916 वर्सा हळदोना ह्या गांवांन जालो. चीक चॉकलेट हांच्या आवयक तांणें एक बरे पयशे मेळपी काम केल्लें जाय आशिल्लें पूण चीकान तशें केलें ना आनी आपली आवड आनी संगीता खातीरचो मोग राखून दवरलो. लुईज आर्मस्ट्रोंग हो जगप्रसीध्द

संगीतकाराक तो आपलो गुरू मानतालो आनी ताच्या पावलांचेर पावल्ला मारतालो. ह्याच गजालीक लागून ताका लुईज आर्मस्ट्रोंग ऑफ इंडिया लेगीत म्हणटाले.

एक फामाद ट्रंपेट वादक म्हण ताणें आपलें नांव कमयल्लें. उपरांत ताणें आपलो स्वताचो संगीत पथक तयार केलो. 'चीक एण्ड द म्युजीक मेकर्स' ह्या नांवांन तांचे संगीत पथक साबार कार्यावळी करतालें. इतलेंच न्हय तर हेर 12 संगीत पथकां वांगडा जिकून तांणी 'द ताज' हॉटेलांतल्या ग्रिन्स हॉटेल हांगां कॉन्ट्रेक्ट जिकिल्लो आनी उपरांत ते थंय वाजोवंक लागले.

बॉलिवूडांत आयलो तेन्ना तांणी साबार फामाद संगीत संयोजकां वांगडा काम केलें. तांचीं कांय फामाद गितां म्हणल्यार;

1. सी. रामचंद्र हांचें 'समाधी' ह्या चित्रपटांतलें 'गोरे गोरे.. वो बन्के छोरे' हें गीत तशेंच तांच्याच 'अल्बेला' ह्या चित्रपटांतलें 'शोला जो भडके' हें गीत.
2. 1952 आयिल्ल्या 'रंगिली' ह्या चित्रपटांतलें 'कोई दर्द हमारा क्या समझे' हें गीत जें लता मंगेशकार हांणी गायलां.
3. तशेंच फामाद चित्रपट जाका लागून तांकां आनीकय नामना मेळ्ळी तो म्हणल्यार दिग्दर्शक नसीर हांचो 'कर भला'.

ह्या सगळ्या संगीत संयोजक आनी दिग्दर्शकां भायर तांणी आनीकय साबार कलाकारां वांगडा काम केलां. ‘अल्बेला’ ह्या चित्रपटांत तांकां आनी तांच्या बेंडाक एका गितांत अभिनय करपाचो लेगीत योग आयलो आनी त्या चित्रपटाक योग्य ती प्रसिध्दी मेळटकच चिकान आपले सगळे फुडले कार्यक्रम त्या चित्रपटांत घतिल्ल्या तसल्याच कपड्यांनी केलें.

चेतन आनंद हांच्या ‘आखरी खाट’ ह्या चित्रपटाच्या रिलीजा उपरांत ज्या चित्रपटांत चीक चॉकलेट हांचें ट्रंपेट वाजयतना साबार शॉट आसात. तांकां मे 1967 वर्सा पिरायेचे 51 वर्सा मरण आयलें.

### 5.4 आशालता वाबगांवकार



आशालता वाबगांवकार हिचो जल्म 2 जुलय 1941 ह्या दिसा काणकोणच्या पाळोळ्या गांवांत जालो. कोंकणी आनी मराठी नाटकांनी काम करून तिणें रंगभुमीची सेवा करपाक सुरवात केली. 100 परस चड मराठी तशेंच हिंदी नाटकानी तिणें काम केल्लें. मुंबयच्या आकाशवाणी

केंद्रा वयल्यान तिणें साबार कोंकणी गितां सादर केल्यांत. तातूंतलेंच एक फामाद गीत म्हणल्यार उदय भेंब्रे हांचें ‘मोगान पिशें’.

मराठी आनी हिंदी नाटकां करता आसतनाच ‘मत्स्यगंदा’ ह्या तिच्या संगीत नाटकांतल्या अभिनयाक लागून तिच्या वाटचालीक एक वेगळीच उंचाय मेळ्ळी. तिका तातूंतल्यान हिंदी चित्रपटांत वाट मेळ्ळी. ‘अपने पाराये’ ह्या चित्रपटा खातीर तिका फिल्मफेराचे नामांकन लेगीत फावो जाल्लें. तिचे कांय फामाद चित्रपट म्हणल्यार;

1. अपने पराये
2. अंकूश
3. आहिस्ता आहिस्ता
4. शौकीन
5. वो सात दीन
6. नमक हलाल
7. यादों की बारात

मराठी आनी हिंदी चित्रपटांनी वा नाटकांनी काम करता आसतना तिणें साबार नामनां जोडली. बॉलिवूड स्टार म्हण हेर कलाकार तिचे कडेन पळयताले. अभिताब बच्चन, धर्मेंद्र सारके कलाकार तिका खूब मान आनी सन्मान दिताले. आशलता वाबगांवकार जरी तिचें नांव आसलें तरीय लेगीत सगळे जाण तिका ‘ताई’ म्हण पाचारताले. ताई सदांच

सांगाताली “अभिनय करता आसतना रडचें पडलें जाल्यार म्हाका ग्लिसीरीनाचो[4] वापार केन्नाच करचो पडना.”

मराठी आनी हिंदी प्रेक्षकांनी तिका आपलें केल्लें. तरी आसतना लेगीत तिचें मन आनी काळीज गोंयांत उरतालें आनी हाका लागून दर फावट गोंयांत येताली आनी हेर कामाक आयिल्ली आसल्यार लेगीत पाळोळ्या आपल्या घरा आनी आपलो देव मल्लीकार्जूनाक भेट दिल्ल्या बगर ती वचना आशिल्ली. ह्या संवसाराक अंतरचे कांय दीस आदीं ती गोंयांत आपल्या घरा आयिल्ली आनी देवाची भेट घेवन कोल्हापुराक एका मराठी मालिकेच्या चित्रीकरणाक गेल्ली. आपलें काळीज जंय रमता थंयच आमी निमणो स्वास घेतात अशें म्हणटात आनी तशेंच जालें. मालिकेचें चित्रिकरण चालू आसतना 22 सप्टेंबर 2020 ह्या दिसा तिका मरण आयलें.

## 5.5 लोर्ना कोल्देरो



फामाद कोंकणी गायिका लोर्ना कोर्देरो जिका पुराय गोंय राणी कोगूळ म्हण पाचारतात हिचो जल्म मुंबय 9 ऑगस्ट 1944 ह्या दिसा

जालो. कोर्देरो हो परिवार पयलीच्यानच कोंकणी संगीताची सेवा करतालो. लोर्नाच्या बापायक सदांच तिणें संगीताची सेवा केल्ली जाय आशिल्ली. कोंकणी संगीत तांच्या रक्तानूंच आशिल्लें हें तिच्या पुराय संघर्शा वयल्यान आमकां पळोवपाक मेळटा. ल्हान आसतना गोंयांत तिचे शेजारी मुजरत तिका गायतना आयकपाक तांगेर येताले. जाल्यार मुंबई तिचो पारसी शेजारी तिचें गायन आयकून तिका तेन्ना खोशयेन 4 आणे दितालो.

लोर्ना काजारांनी वाजताल्या बेंडांनी गायतालें. 'बजाज एण्ड हीज डांस बेंड' हें तिचें पयलें बेंड, उपरांत एक दीस अशेंच गायता आसतना क्रिस पेरी तिका पळयलें आनी आपल्या बेंडान घेतलें. तेन्ना ती फक्त 15 वर्सांची. तेन्नासावन तिणें क्रिस पेरीच्या बेंडान गावपाक सुरवात केली. तिच्यो कार्यावळी बॉम्बे, कोलकत्ताक, मद्रास, दिल्ली आनी बैंगलोर जाताल्यो.

तिणें गायिल्लें पयलें गीत म्हणल्यार मिरामार दर्यावेळेर गायिल्ले 'बेबदो' हें गीत. उपरांत तिणें साबार फामाद गितां गायलीं देखीक

1. नाचुया खुंपासार
2. पिसो
3. लिजबॉआ
4. रेड रॉज

5. अदेवस

6. तुजो मोग

7. कळंगूट

8. सोरगा राज्या

9. अमेरिकाक पावशी

10. सोर्ग तुज्या दोळ्यांनी

11. तूं आनी हांव

अशी कितलीशींच गितां जी हांगां सांगपाक गेल्यार वळेरी पावची ना इतलीं गितां तिणें गायिल्लीं आसात. क्रिस पेरीन तिचे कडेन कॉन्ट्रेक्ट केल्लो की ती आनी कोणाच वांगडा गावपाना आऩी उपरांत पिरायेच्या 26 वर्सा तिणें क्रिस पेरीचे बेंड आनी गायन दोनूय सोडलें.

पूण 1995 वर्सा रोनी मोन्सेरात हांणें लोर्नाक समजावन परत गावपाक लायलें आनी ‘हेलॉ लोर्ना’ ह्या नांवांन मिरामार दर्यावेळेर तिची कार्यावळ जाली आनी थंयच्यान लोर्ना परत गोंयकारां मुखार आयलें. ‘आयकात म्हजो तावो’ हें गीत त्या रातीचें सगळ्यांच्या आवडीचें गीत थारलें.

लोर्नान आपल्या पुराय कार्यकाळांत कितल्याश्याच गायक आनी संगीत सयोजकां वांगडा गिता म्हणल्यात देखीक

1. बप्पी लेहरी

2. कल्याणजी - आनंदजी

3. लक्ष्मिकांत - प्यारेलाल

4. राजेश रोशन

5. मोहमद्द रफी

6. सुदेश भोंसले

गोंय वा भारतांत न्हय तर पुराय जगांत तिच्यो कार्यावळी आयज लेगीत जातात. 15 वर्साच्या लोर्नाक आयकपाक जाताली ती गर्दी आयज लेगीत पिरायेच्या 80 वर्साचेर ती गायतान जाता. कारण जशें लोर्नान सदांच म्हणलां ‘आवाज म्हजो कानार तुमच्या सोदांच तिश्टांनी रावों....’

5.5 **आल्फ्रेड रोझ**



5 ऑगस्ट 1932 ह्या दिसा तियात्रिस्ताच्या घरांत हळदोण्या, आल्फ्रेड रोझ हाचो जल्म जालो. आल्फ्रेड रोझान सुरवात केली ती तियात्रांनी कांतारां म्हणून आनी सगळ्यांत ल्हान आशिल्ले कारणान फामाद कोंकणी तियात्रिस्त सी. आल्वारीस हांणे ताका ज्युनीयर रोझ म्हण पाचारपाक सुरवात केल्ली.

आल्फ्रेड रोझ हांची कांतांरां आयज लेगीत आकाशवाणीच्या पणजी केंद्राचेर आमकां आयकपाक मेळटात. अशें म्हणटात तांणी लागीं लागीं 5000 कांतांरांची रचना केल्ली आसा. ताचें खरें नांव रॉझारियो अल्फ्रेड फेर्नांडीस पूण 1943 वर्सा ताणें पयलें तियात्र केलें आनी 1950 वर्सा स्वताक 'आल्फ्रेड रोझ' म्हण लोकांच्या सामकार हाडलो.

आल्फ्रेड रोझ हांकां साबार पदवी लोकांनी तशेंच फामाद संगीतकारांनी दिल्ल्यो. गोंयकार तांकां 'द किंग ऑफ मेलडी' म्हण वळखताले. फामाद रेकॉर्डींग कंपनी एच.एम.व्ही हिणें ताका 'द मॅन विथ गॉल्डन व्होयज' ही पदवी दिल्ली. आल्फ्रेड रोझ हांणी सुमार 60 वर्सां कोंकणी संगीताच्या मळार वावर केल्लो आमकां पळोवपाक मेळटा. इतली वर्सां योगदान दिल्लो कलाकार कोंकणी संगीतांत आमकां आनी कोण पळोवपाक मेळना.

कोंकणी भाशेंत पयली ऑडियो केसेट[5] हाडपाचो मान आल्फ्रेड रोझ हांकां फावो जाता. आल्फ्रेड रोझ हांणी कोंकणी माचयेर नॉन स्टॉप ड्रामां हो तांच्या 'डायरेक्टर सायब' ह्या तियात्रांतल्यान 1961 वर्सा हाडलें. तांणी साबार बॉलिवूड चित्रपटांनी संगीत दिलां. तातूतलेंच एक म्हत्वाचें म्हणल्यार 'द लव इन गोवा'. तशेंच तांच्या भावा वांगडा मेळून तांणी 'रॉजबड्स स्वींग बेंड' सुरू केलें. कोंकणी संगीताची घुडी उबारपी ह्या म्हालगड्याक 21 ऑक्टोबर 2003 ह्या दिसा मरण आयलें.

## 5.7 रेमो फेर्नांडीस



लुईज रेमो दे मारिया बेर्नाद फेर्नांडीस म्हणल्यार आमचे गोंयकारांच्या मोगाचो रेमो फेर्नांडीस. ताचो जल्म 8 मे 1953 ह्या दिसा पणजेच्या फेर्नांडीस घरांत जल्माक आयलो. रेमो फेर्नांडीस हांचें संगीतांत एक वेगळो ताल मेळटा, एक वेगळेपण जाणवता. भुरगेपणांत गोंयच्या संस्कृतायेचो तांचेर जाल्लो प्रभाव आनी उपरांत जग फिरता आसतना तांकां मेळिल्ले संगीताचे ताल हांचे दोगांचो संगम करून तयार केल्लें संगीत हें रेमो फेर्नांडीसाचें संगीत अशें म्हणू येता.

क्रिस्तांव घरांत जरी जल्माक आयलो तरी लेगीत देव हो धर्माच्या फुडें आसा अशें रेमो फेर्नांडीस सदांच सांगता. तशेंच ‘द व्हिक’ हांणी घेतिल्ल्या मुलाखतींत रेमो सांगता -

**"After about a decade of going crazy over Elvis Presley, Cliff Richard, The Shadows, The Beatles and The Rolling Stones, one of the greatest influences in my life was the psychedelic music of the 70s..."**

**“लार्गी लार्गी एक दसकाच्या उपरांत म्हाका एल्वीस प्रेसली, क्लिफ रिचार्ड, द शेडोज, द बिटल्स आनी द रॉलींग स्टोन्स हांच्या संगीतानी पिशें लायलें. तांच्या 70 च्या संगीताचो म्हजेर घुंवळी वखदां सारको प्रभाव पडलो.”**

शाळेंत आसतना आपल्या 3 इश्टां वांगडा मेळून ‘द बीट’ 4 ह्या नांवांन बेंड सुरू केलें आनी वयाच्या 14 वर्सा ताणें आपलें पयलें गीत रचलें. ताचे उपरांत तांकां साबार इनामां मेळत गेल्लीं.

1995 वर्सा रेमो हिंदी चित्रपटांत भितर सरलो. मणीरत्नमाच्या चित्रपटांतलें ए.आर. रेहमान हांचें ‘हम्मा हम्मा’ ह्या गिता वयल्यान तांकां गायक म्हण व्हड नामनां मेळ्ळी. तेन्नाचान देशांत रेमो फेर्नांडीस नांवाची वळख घडयली. हाचे उपरांत तांणी साबार गितां रचलीं, गायलीं, संगीत दिलें तशेंच साबार कलाकारां वांगडा काम केलें. तांचें गाजिल्ल्या गितां मदलें आनीक एक गीत म्हणल्यार ‘द बॉम्बे सीटी’ आनी ‘मारिया पिताशे’. हें सगळें करता आसतना रेमो आपल्या घरची वाट केन्नाच विसरलो ना आनी हाकाच लागून साबार वर्सां ताणें आपल्या गावांत येवून शिवोलेच्या जागरांत वांटो घेतला.

रेमो फेर्नांडीस हो एक खरो गोंयकार, एक खरो कोंकणी मोगी आनी हाकाच लागून कोंकणी चळवळीच्या साबार माचयेंचेर रेमो आमकां कोंकणी गितांतल्यान लोकांक जागयतना दिश्टी पडला. आपली संगीत

आनी कला तांणें फक्त पयशे जोडपाक वापरली ना जाल्यार आपल्या भाशेची राखण करपाकूय वापरली.

## **संदर्भ वळेरी आनी टिपो**

(1) कूड: बॉम्बे तेन्ना गोंयकारांच्यो कुडी म्हण आसताल्यो. दर एका गांवची एक कूड. एन्थनी गोन्साल्वीस रावतालो ती कूड माजोर्डा गांवची. ह्या कुडीनी बॉम्बे कामाक येवपी गोंयकारांक रावपाची सोय आसताली. कूड म्हणल्यार एक लांब अशें साल. त्या सालांत दर एकल्याचे ट्रंक आनी त्या ट्रंका इतलोच तांचो त्या कुडींत जागो. रातचें न्हिदतना तांणी आपलें सामान काडप आनी सकाळ जाली की आशिल्लें तशें तें सामान परत भितर घालप.

(2) वेनीसकल्ब: वेनीस क्लब मुंबयाच्या चर्चगेट स्टेशना सायडीन आशिल्ल्या ऐस्टोरीया हॉटेलांत आसा. ह्या क्लबांत साबार बेंड वाजयताले आनी तातूंतलेच एक म्हणल्यार क्रिस पेरी बेंड. त्या आठवड्यांत जावपा आशिल्ल्या सगळ्या बेंडाचे पॉस्टर हॉटेलाच्या सामकार आशिल्ल्या 'इरोज नांव' च्या इमारतीक चिकटायल्ले आसताले.

(3) नॉट्स: पाश्चात्य संगीत वाजतलो जाल्यार हे नॉट्स काडेचे पडटात जाका लागून ते वाजयता आसतना सोपें पडटा. भारतीय संगीतांत काळी वा मात्रा आसता तशेंच पाश्चात्य संगीतांत नॉट्स आसतात.

(4) ग्लिसिरीन: ग्लिसिरीन म्हणल्यार एका प्रकाराचे ड्रोप्स, जे अभिनय करता आसतना रडपाचो सिन आसत जाल्यार दोळ्यांत घालतात जाका लागून दोळ्यांतल्यान दुकां येवपाक मदत जाता.

(5) ऑडियो कॅसेट: आयज जश्यो ऑडियो सीडी आसतात तश्यो आदल्या काळार ऑडियो केसेट येताल्यो जांकां वाजोवपाक एक व्हडलो ग्रामोफोन आसतालो.

(6) https://en.wikipedia.org/wiki/Anthony_Gonsalves

(7) https://en.wikipedia.org/wiki/Chris_Perry_(musician)

(8) https://en.wikipedia.org/wiki/Chic_Chocolate

(9) https://en.wikipedia.org/wiki/Ashalata_Wabgaonkar

(10) https://en.wikipedia.org/wiki/Alfred_Rose_(singer)

(11) https://en.wikipedia.org/wiki/Remo_Fernandes

(12) https://en.wikipedia.org/wiki/Lorna_Cordeiro

(13) https://youtu.be/K_vWo_ZEHhM?list=PLU8RH8EHx1j9Gra-QJ90iuzDGVlQCVTVD

# प्रकरण 6

## 6. निश्कर्श आनी समारोप

6.1 भारतीय चित्रपटांत कोंकणी कलाकारांनी भरीव योगदान दिलां

6.2 भारतीय चित्रपटांत कोंकणी जिवन आनी वाठार चित्रीत जाला

6.3 भारतीय चित्रपटांनी कोंकणी मनशांचे जिवन चुकीच्या पद्दतीन आयलां

6.4 भारतीय चित्रपटांनी कोंकणी लोकसंगीताचो दिश्टावो घडटा

6.5 भारतीय चित्रपटांन कोंकणी संगीतकार आनी गायक हांणी अज्रंवर योगदान दिलां

6.6 भारतीय चित्रपटांत कोंकणी गायक आनी संगीतकारांचेर अन्याय जाला

6.7 समारोप

# 6. निश्कर्श आनी समारोप

“कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकारांचें भारतीय चित्रपटांत योगदान” ह्या माथाळ्या खाला हो अभ्यास केल्लो आसा. कोंकणी मनशाक आपली केन्नाच स्वता तुस्त करपाक आवडना. स्वताक मेळिल्लें समादान हेंच तो आपल्या कामाची पावती अशें मानता.

गोंयचो, कोंकणी भाशेची तशेंच गोंयकारांची इतिहासीक फाटभूंय पळयली जाल्यार जाणवता तें गोंयकारांनी केन्नाच आपल्याचेर वा आपल्या भुंयेचेर राज्य करूंक ना. दर फावट भायलो राजा येवन आमचेर राज्य करून गेला. ह्या काळखंडांत गोंयकार नोकरे खातीर वा शिकपा खातीर गोंया भायर गेलो आनी थंयच स्थायीक जालो. पूण हो आंकडो सोदपाक गेल्यार चड आसपाना. 1510 वर्सा पुर्तूगेज राजवट गोंयांत आयली आनी तांणी भाटाभाटीचे सत्र सुरू केलें. तेन्ना हे लोक जे कामाक वा शिकपाक लागून भायर वताले तांचे वांगडा आपलो धर्म, देव वाटावपाक गोंय साडून गेले.

ही फाटभूंय सांगपाचें कारण म्हणल्यार गोंयांत आयज गोंयकारां बद्दल कितेंय अभ्यास करतले जाल्यार आमच्या वाट्याक आयिल्ल्या इतिहासाची उजळावणी करचीच पडटा.

ह्या विशयाचो अभ्यास करता आसतना लेगीत इतिहासीक फाटभूंय पळोवची पडल्या आनी सगळ्यांत पयलीं ज्या गजालीचो नियाळ घेवचो कसो दिसता तो म्हणल्यार पुर्तूगेजांक लागून गोंयकार कलाकार भायर गेले अशें म्हणप योग्य जावचे ना.

अभ्यास करता आसतना जितल्याय मानेस्तांकडेन म्हसो सबंद आयलो तांणी सगळ्यांनी हेंच सांगले की, गोंयकार कलाकार हांगां पाश्चात्य वाद्यां वाजोवंक शकतालो वा तांकां वाजोवंक कळटाली जाल्यार ती फक्त पुर्तूगेजांक लागून अशें न्हय की गोंयका पयलीं वाद्यां वाजय नाशिल्लो पूण पुर्तूगेजांनी तांकां इगर्जेनी पाश्चात्य वाद्यां वाजोवप सक्तीचें केलें आनी ताका लागून गोंयकारांक तें शिकचेंच पडटाले. ह्या कारणाक लागून आमचे कडेन साबार संगीत कलाकार तयार जाले.

“कोंकणी समाज, संगीत आनी कलाकारांचें भारतीय चित्रपटांत योगदान” हो एक व्हड विशय जावन आसा. कोंकणी म्हणटात तेन्ना मुंबयच्या वाशी साकून सुरू जावपी हो वाठार केरळच्या कोची मेरेन वता आनी सगळ्यांत म्हत्वाची आमकां कोंकणी मनशांक सुखदिणी गजाल म्हणल्यार ह्या पुराय वाठारांत कितलेशेच कलाकार आसात जांणी भारतीय चित्रपटांत योगदान दिलां. ह्या प्रबंधिकेक एक मर्यादा आसा, वेळाचे बंदन आसा आनी ह्यो सगळ्यो गजाली लक्षांत दवरून सगळ्यांत पयली म्हजो

अभ्यासाची शीम थारायली आनी कोंकणी मनीस म्हणटा आसतना हांव फक्त गोंयां पुरतो आनी भारतीय चित्रपटाचो लेगीत आंवाट मोटो आशिल्ले कारणान फक्त बॉलिवूड इंडस्ट्री खातीर म्हाका मर्यादीत करतलो अशें थारायलें.

हो अभ्यास करपाक कांय प्रकरणा तयार केलीं आनी तांच्या आदारान फुडें वचत रावलों. हांगां तांचो एक ल्हानसो नियाळ घेवन तांकां निश्कर्श लावपाचो प्रयत्न करतां.

सगळ्यांत पयलीं हो विशय कित्याक गरजेचो हें सांगप खूब म्हत्वाचें आशिल्लें. प्रस्तावना आनी विशय प्रवेशांतल्यान तें मांडलां. गोंयकारांनी आमच्या देशांत केदें मोठें योगदान दिलां हाची जाणीव जावप खूब म्हत्वाची आशिल्ली. विशयाची निवड करता आसतना हें लेगीत लक्षांत आयलें ह्या विशयाचेर फावो तितलो अभ्यास जावंक ना आनी ताका लागून चड म्हायती छापील पद्दतीन मेळना जें कितें आसा तें मौखीक रुपान आनी हाकाच लागून हांवे केल्ल्या अभ्यासाचो फुडाराक संशोधन करतल्याक उपेग पडचो ह्या हेतून ह्या विशयाक हात घातलो.

प्रस्तूत विशय अभ्यास करून तशेंच ताची चिकित्सा करून ह्या विशया संदर्भांत सकयल दिल्ले निश्कर्श मांडल्यात;

## 6.1 भारतीय चित्रपटांत कोंकणी कलाकारांनी भरीव योगदान दिलां

चित्रपट वा तांचे फाटली तांत्रीक बाजू सगळ्यांक खबर आसता अशी ना. भारतीय चित्रपट आनी ताचो इतिहास, ताचो उगम, म्हत्वाच्यो इंडस्ट्री आनी आयज भारतीय चित्रपटाची स्थिती कशी आसा हें लोकांमुखार पयलीं मांडप म्हत्वाचें आशिल्लें कारण सरळ विशयाक सुरवात केली जाल्यार म्हाका सांगपाक जाय, जें गोंयकारांनी चित्रपटसृश्टीक योगदान दिलां तें सारकें कळटलें जाल्यार हें कळप खूब म्हत्वाचें आशिल्लें. कारण जरी हावेन अभ्यासाक फक्त बॉलिवूड इंडस्ट्री घेतिल्ली आसली जाल्यार लेगीत कोंकणी मनशांचें योगदान पुराय भारतीय चित्रपट सृश्टीक मेळिल्लें आसा.

## 6.2 भारतीय चित्रपटांत कोंकणी जिवन आनी वाठार चित्रीत जाला

आयज चित्रपट पळयता आसतना आमकां कोंकणी मनशां विशीं चुकीच्यो गजाली मांडिल्ल्यो पळोवपाक मेळटात. ह्या विशयाक धरून एक प्रकरण आसप गरजेचें आसा अशें म्हाका सदांच दिसतालें आनी ताकाच लागून ह्या प्रकरणाच्या अंतर्गत हावेंन कोंकणी समाज, चित्रपटांनी आयिल्लो कोंकणी समाज,

चित्रीच केल्ल्या आनी खऱ्या कोंकणी समाजा मदीं एक तुळनात्मक अभ्यास केला. ह्या प्रकरणाचो मूळ हेतू म्हणल्यार जरी म्हजी प्रबंधिका देवनागरींत आसली जाल्यार लेगीत ह्या प्रबंधिकेचो अणकार वा नाचजाल्यार ह्या एकाच प्रकरणाचो अणकार इंग्लिशेंत जावन संवसाराक आनी देशांतल्या सगळ्यांक म्हाका कळोवपाक जाय की चित्रपटांनी जसो गोंयकार दाखयतात तशो खरो गोंयकार ना.

## 6.3 भारतीय चित्रपटांनी कोंकणी मनशांचे जिवन चुकीच्या पद्दतीन आयलां

आमी गोंयकार सदांच दर्यावेळेर वचनात. आमी गाडी चलयता आसतना वा रस्त्यार मदीं रावन सोरो पिनात. आमी कामाक वता आसतना मोडवें कालसांव घालनात. म्हाका दिसता चित्रपटांत येवपी गोंयकार हो पुरायपणान एक मनोरंजना खातीर आसता आनी हाकाच लागून आमची संस्कृती आनी आमच्या मायभूंयेची नदरेन लोकांक वळख जाता. भायर कशें तरेन चित्तात हाचेर आमचो ताबो उरना पूण ह्या चित्रपटांतले चडशे चित्रपट गोंयांत चित्रीत जातात आनी तें करतलो जाल्यार कायद्याप्रमाण गोंय सरकाराच्या “गोंय मनोरंजन खातें” ह्या खात्याची रितसर पर्वांगी घेवची पडटा. हांगां पर्वांगी दिता आसतना चित्रपट रिलीज

करच्या पयलीं खत्यान नेमिल्ल्या समितीक दाखोवचो पडटलो म्हण सांगप गरजेचें आनी त्या समितीन गोंयच्या बद्दल वायट गजाली वा चुकिची गजाल तातूंत आयल्या जाल्यार त्या चित्रपटाक रिलीज जावपाक पर्वांगी दिवपाक जायना. अशें केलें जाल्यार खंय तरी आयज गोंयकारांक जें सोसचें पडटा तें कमी जातलें अशें म्हाका दिसता.

## 6.4 भारतीय चित्रपटांनी कोंकणी लोकसंगीताचो दिश्टावो घडटा

हो विशय प्रबंधिकेक घेवपा फाटलो हेतू आशिल्लो तो म्हणल्यार जाता तितलें कोंकणी संगीताचेर भर घालपाचो आनी ताकाच लागून मुखेल अशें प्रकरण ह्या प्रबंधिकेचें म्हणल्यार भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी संगीत. ह्या प्रकरणांत भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी संगीत आनी त्या संगीतकारांचेर भाश्य केलां. कोंकणी लोकवेद आनी ताच्या अंतर्गत लोकसंगीत, लोकनाट्य आनी हेर प्रकार खूब फामाद आसात. हेंच आमचें कोंकणी लोकसंगीताचो वापर आमकां भारतीय चित्रपटांत जाल्लो दिसता आनी म्हत्वाचें म्हणल्यार थंय खंयच्याच लोकांक तें कळना की ह्या गिताची चाल वा ह्या गितांतलें संगीत हें मूळ कोंकणी लोकसंगीत आसा. तशेंच साबार गितांनी आमकां आमची लोकवद्यांचो वापर केल्लो पळोवपाक मेळटा आनी हाकाच लागून

ह्या प्रकरणांत भारतीय चित्रपटांत आयिल्लें कोंकणी लोकसंगीत अश्या माथाळ्या खाला अभ्यास केल्लो आसा त्याभायर जशें हावेंन सांगलें कोंकणी लोकवद्याचो लेगीत वापर जाल्लो आयकपाक मेळटा म्हण हावेंन भारतीय चित्रपटांत आयिल्ली कोंकणी लोकवद्यां असोय एक माथाळो मुखेस माथाळ्या अंतर्गत घाला.

## 6.5 भारतीय चित्रपटांन कोंकणी संगीतकार आनी गायक हांणी अज्रंवर योगदान दिलां

ह्या प्रबंधिकेचे निमाणें प्रकरण म्हणल्यार गोंयकार आनी खास करून भारतीय चित्रपटांत योगदान दिल्ल्या वेंचीक कोंकणी कलाकारांची वळख दिवपाचो यत्न केला. मांडिल्ल्या कलाकारांक सोडून आनी साबार कलाकार आसात पूण एक बंदन पाळपाक हावेंन तशें केल्लें आसा. ह्या प्रकरणांत हावेंन फक्त सात कलाकारांची वळख घडयली आसा जातूंत सुरवाते साकून आयज लेगीत योगदान दिवपी कलाकारांचो आसपाव हावेन केला. जशें हावेंन पयलीं सांगलां ह्या प्रबंधिकेचो मूळ हेतू आशिल्लो तो कोंकणी संगीतकारांच्या योगदाना विशीं आनी भारतीय चित्रपटांत आयिल्ल्या संगीताची वळख गोंयकार आनी कोंकणी मनशांक घडोवपा विशीं आशिल्लो आनी ताकाच लागून ह्या प्रकरणांत आयिल्ले सगळे कलाकारांनी संगीताच्या मळार योगदान दिल्लें

आसा हाची काळजी घेतल्या. तशें आसून लेगीत तातूंत कांय कलाकार आसात जाणीं हेर मळार लेगीत इंडस्ट्रींत योगदान दिलां.

### 6.6 भारतीय चित्रपटांत कोंकणी गायक आनी संगीतकारांचेर अन्याय जाला

कामाक लागून मुंबय गेले तेन्ना तांकां खूब अत्याचार सोसचे पडले. कोंकणी मनीस म्हण सांगतकच तांकां सहज काम मेळनाशिल्लें अशें आसतना लेगीत ते थंय रावले आनी आपलेचो वापर करून तांकां कोंकणी मनीस कितले ताकतिचो आसता हें पटोवन दिलें. साबार गोंयकार तेन्ना मुंबयाच्या कल्बान बेण्डानी वाजयताले. थंय दिसाक कितें मेळटा तीच तांची जोड. आपली भूंय, भास आनी कला राखून दवरापक कोंकणी मनीस तेन्ना झरला म्हणल्यार अतिताय जावची ना. कोंकणी मनशाक थंय कमी लेखप सामकें सोपें जाल्लें आनी हाकाच लागून तांकां काम मेळटा तेन्ना लेगीत तांचे कलेक आपले नांव लावन तेन्ना व्हड व्हड संगीतकार लोकांमुकार हाडटाले. हांगा तांचेर जाल्लो अन्याय आनी कोंकणी मनशाचो केल्लो अपमान आसा.

ह्या विशयाचो अभ्यास करपाक हांव कांय दीस मुंबय गेल्लो, थंय जायत्या लोकांक मेळ्ळो तांचे कडेन संवाद सादलो. तेन्ना एक गजाल मनाक खूब भावली ती म्हणल्यार कोंकणी कलाकारां वांगडा

काम करपी जे हेर वाठारांतले सह कलाकार आशिल्ले तांकां आयज लेगीत गोंयकार कलाकारां खातीर खूब अभिमान आसा आनी तांची मतां हावेंन प्रकरणानी मांडल्यात. पूण ह्याच अभ्यास भोंवडेर आसतना हांव मुंबयच आशिल्ले एन. एफ. डी. सी. म्हणल्यार नेशनल फिल्म डेविलॉपमेंट कॉरपॉरेशन ऑफ इंडिया ह्या आस्थापनाक भेट दिली. तांची दोन व्हडली संग्रालयां आसात जंय भारतीय चित्रपटाची म्हायती आसा. अर्द आदेस वता हें भोवपाक इतिली व्हडली. हांगां गोंयकार कलकार, कोंकणी संगीत वा कोंकणी आनी गोंयांक धरून कसलीच म्हायती हांगां लायिल्ली पळोवपाक मेळूंक ना हें खूब वायट दिसलें. हांगां गेल्ले कडेन म्हाका मेळ्ळे ते फक्त गोंयांत जावपी इफ्फिच्या उक्तावण सुवाळेचे फोटो.

## 6.7 समारोप

ह्या विशयाचो अभ्यास करता आसतना जाणवलें तें म्हणल्यार जरी हावेंन मर्यादा घालून ह्या विशयाचेर अभ्यास केला तो आनीक मोठ्या प्रमाणान जावपाक जाय आनी चड कार्यकाळ हें संशोधन करपाक मेळपाक जाय. आयज हावें खंय तरी म्हज्या ह्या विशयाच्या अभ्यासाक बुनयाद मारिल्ल्याची म्हाका खोस जाता आनी हो विशय मर्यादा दवरिनासतना काम करपाचो हावेस हावेंन बाळगिला. तशेंच हावेंन सुरवातेकच सांगिल्लें तशें म्हजो हो

विशय फक्त भारतीय चित्रपटांत संगीताच्या मळार योगदान दिल्ल्या कलाकारांक घेवन आसा आनी अशे साबार कलाकार आसात जाणी हेर चित्रपटाच्या फाट्यानी योगदान दिल्लें आसा आनी तांचो अभ्यास जावप भोव गरजेचो आसा. कोंकणी समाज, भास, मनीस, लोकवेद जाता तितले लोकांमेरेन पावतलो जाल्यार आमकां जाता तितलें संशोधनात्मक काम करचें पडटलें.

ह्या विशयाक हांव हांगांच पुर्णविराम दिनासतना सल्पविराम दितलो कारण हो शेवट न्हय, ही एक सुरवात आसा नव्या कार्याची. भारतीय चित्रपटांत योगदान दिल्ल्या दर एका कलाकाराक फावो तो मान मेळटलो हाची जतनाय हांव घेतलो. आयज वेळाक आनी हेर कारणाक लागून साबार विशय सोडचे पडल्यात पूण तांचेर फुडाराक हांव अभ्यास करपाचो हावेस बाळगितां. सगळ्या कोंकणी कलाकारांनी आमकां एक वेगळी वळख भारतीय चित्रपटांत मेलोवन दिल्ल्या तांकां फावो तो मान मेळोवन दिवप ही आमची जापसालदारकी.

# 7. आदारावळ


1. Agni, Dattaprasad. *Bollywood Films Projection in Goa* 06 March 2024. Konkani.
2. Barreto, Bardroy. *Konkani Music in Bollywood* 26 February 2024. Konkani.
3. Booth, Gregory D. *Behind The Curtain*. New York: Oxford University Press, 2008.
4. “Cinema of India.” n.d. English. <https://en.wikipedia.org/wiki/Cinema_of_India>.
5. Cinema, Konkani. “Wikipedia.” n.d. <https://en.wikipedia.org/wiki/Konkani_cinema>.
6. *Feedler's Green*. Perf. Arko Mukharjee. 2018. <https://youtu.be/vzYEU0KGj9g>.
7. “Goans In Hindi Film Music Compostition.” n.d. English. <https://en.wikipedia.org/wiki/Goans_in_Hindi_film_music_composition>.
8. Haldipura, Amar. *Goan Musicians as Co Musicians* 25 February 2024. English.
9. Jagtap, Ahsok. *The Golden Era of Hindi FIlm Music*. MI,USA: Professor Toofani Publishers, 2022.
10. “Konkani Cinema.” n.d. English. <https://en.wikipedia.org/wiki/Konkani_cinema>.
11. Kulkarni, Saleel. *Goan Music in Marathi film industry* 15 February 2024. Marathi.
12. Panandikar, Saiesh. *Goan Musicians in Bollywood* 17 February 2024. Konkani.
13. Prabhudessai, Sandesh. *Goan Artists in Bollywood* 08 February 2024. Konkani.
14. Premchand, Manik. *Music in Indian FIlm* 25 February 2024. English.
15. Sharma, Pyarelal. *Goans as Musicians* 26 February 2024. Hindi.
16. Viegas, Andrew Greno. *50 Years of Konkani Cinema*. Margao: Viegas Publication, 2000.
17. Vijaykara, Dr. Rajiv. *Indian Composers* 27 February 2024. English.
18. Vijaykara, Rajiv. *Music by Laxmikant Pyarelal*. New Delhi: Rupa Publications, 2021.
19. आंगले, भिकू पै. *मराठी रंगभूमी आणि गोमंतकाची देण.* मडगाव: लक्ष्मी भि. पै आंगले, 2008.

20. तानाजी (संपादक) हळर्णकार. *कोंकणी विश्वकोश - खंड 1.* ताळगांव गोंय: गोंय विद्यापीठ, 1991.

21. दान्तस, इजिदोर. *कोंकणी चलचित्रां.* मडगांव - गोंय: एड. बेर्नाद एफ्. डिसोझा, 2015.

22. *नाचुंया खुंमपासार.* Dir. बड्रे बरेटो. 2015.

23. नायक, पुंडलीक. *कोंकणी नाट्यस्पर्धेचीं पंचवीस वर्सां 1976-77 - 2000-01*. पणजी गोंय: गोवा कला अकादमी, 2001.

24. श्याम वेरेंकार, माधवी सरदेसाय, कमलाकर म्हाळशी (संपादक). *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय.* मडगांव गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, 2003.

25. हळर्णका, तानाजी (संपादक). *कोंकणी विश्वकोश.* ताळगांव, गोंय: गोंय विद्यापीठ, 2000.

26. —. *कोंकणी विश्वकोश - खंड - 2*. ताळगांव, गोंय: गोंय विद्यापीठ, 1997.

27. —. *कोंकणी विश्वकोश - खंड - 2*. ताळगांव, गोंय: गोंय विद्यापीठ, 1999.

28. हळर्णकार, तानाजी (संपादक). *विश्व कोंकणी परिचय कोश - खंड - 2*. शक्तीनगर, मंगळूर: कोंकणी भास आनी संस्कृती प्रतिष्ठान, 2013.

# 8. परिशिश्ट

8.1 परिशिश्ट 1

भारतीय चित्रपटांत योगदान दिल्ल्या गोंयकार कलाकारांची वळेरी

8.2 परिशिश्ट 2

भारतीय चित्रपटांत कोंकणी संगीत एक फोटोझलक

8.3 परिशिश्ट 3

गोयांत चित्रीत केल्ल्या कांय चित्रपटांचे पोस्टर आनी चित्रीत जाल्ले खीण

# 8. परिशिश्ट

## 8.1 परिशिश्ट 1


भारतीय चित्रपटांत योगदान दिल्ल्या गोंयकार कलाकारांची वळेरी

| नांव | कला |
|---|---|
| अंजनीबाय माल्पेकार | शास्त्रीय गायिका |
| आन्तोनियो फोर्तोंतो दे फेग्युरेदो | वायॉलीन वादक |
| अन्थनी गोन्साल्वीस | वायॉलीन वादक |
| चीक चॉकलेट | ट्रंपेट आनी संगीतकार |
| क्रिस पेरी | ट्रंपेट आनी संगीतकार |
| कॉलीन डिक्रुज | बाझ वादक |
| दत्ता नायक | संगीतकार |
| दिनानाथ मंगेशकार | शास्त्रीय गायक |
| एस्थर एड्न | पॉप गायक |
| फ्रेंक फेर्नांद | ट्रंपेट, वायॉलीन वादक तशेंच संगीत संयोजक |
| हेमा सरदेसाय | गायिका |
| आय्न डिसा | गितार वादक |

| | |
|---|---|
| जितेंद्र अभिशेकी | शास्त्रीय गायक |
| केसरबाय केरकार | गायिका |
| खापरूमामा पर्वतकार | घुमट आनी तबला वादक |
| किशोरी आमोणकार | शास्त्रीय गायिका |
| लियॉन्सी | गायक |
| लोर्ना कोर्देरो | गायिका |
| लॉरदीनो बारेटो | संगीतकार |
| मोगुबाय कुर्डीकार | शास्त्रीय गायिका |
| ऑलीवर सेन | गायक आनी गितकार |
| प्रभाकार कारेकार | शास्त्रीय गायक |
| प्रसाद सावकार | गायक |
| रेमो फर्नांडीस | गायक आनी संगीतकार |
| सेबेस्तीयन डीसौजा | संगीत संयोजक |
| सोनिया सिरसाट | गायिका |
| सुरेश हळदणकार | नट आनी शास्त्रीय गायक |
| तुळशीदास बोरकार | पेटी वादक आनी संगीतकार |
| अजीत कडकडे | शास्त्रीय गायक |
| के वैकूंट | छायाचित्रकार |

## 8.2 परिशिश्ट 2

### भारतीय चित्रपटांत कोंकणी संगीत एक फोटोझलक



एस्टर हॉटेल जंय गोंयकार कलाकार बेण्ड वाजयताले



एस्टर हॉटेलाच्या सामकार आशिल्ली इरॉझ नावाची इमारत



मुंबयची 'कूड' जंय गोंयकार रावताले



फामाद संगीतकार आनी वयोलीन वादक एन्थनी गोन्साल्वीस ज्या कुडींत रावतालो त्या माजोर्डा कल्बाची इमारत




संगीतकार प्यारेलाल शर्मा, लता मंगेशकार आनी एन्थनी गोन्साल्वीस



आदले तेपांर गितां कशीं रेकॉर्ड जातालीं ताची झलक. फोटोंत संगीत संयोजन करतना एन्थनी गोन्साल्वीस

## 8.3 परिशिश्ट 3

गोयांत चित्रीत केल्ल्या कांय चित्रपटांचे पोस्टर आनी चित्रीत जाल्ले खीण
















GOA


KABHI HAAN
KABHI NAA


AMITABH BACHCHAN
SHATRUGHAN SINHA
BOMBAY TO GOA
N.C.SIPPY · S.RAMANATHAN · R.D.BURMAN · RAJINDER KRISHAN


ALIA BHATT
SHAH RUKH KHAN
DEAR ZINDAGI
GAURI SHINDE
GAURI KHAN • KARAN JOHAR • GAURI SHINDE
25TH NOVEMBER


DRISHYAM
31ST JULY


Honeymoon
TRAVELS PVT. LTD.


GO GOA GONE
I KILL DEAD PEOPLE


SAAT HINDUSTANI


ROMANCE
LOVE
FUN
LIFE
PASSION
FINDING FANNY







